

बायल म्हागेल हुशार

विनोदी कोंकणी नाटक

: लेखक :

श्री. संदेश श्रीकांत बांदेकर

जिंदगी में इतनी शिद्दत से
निभाना अपना किरदार...
के परदा
रने के बाद भी तालियाँ बजती रहें।

।। श्री शांतादुर्गा साईबाबा प्रसन्न ।।




बायल म्हागेल हुशार

विनोदी नाटक



: लेखक :
संदेश श्रीकांत बांदेकार

: सचीव :
कोंकणी संस्कृती मंडळ
सदाशिवगड, कारवार - 581352
मो.: 0-9480790172



निर्माण प्रकाशन

बायल म्हागेल हुशार

(नाटक)

लेखक :

संदेश श्रीकांत बांदेकार

प्रकाशन :

पयली उजवाडावणी

९ सप्टेंबर २०१५

उजवाडावपी :

श्री. सिद्धेश कामुलकार

निर्माण प्रकाशन,

सुरंगी भाट,

मंगेशी, फोंडें-गोंय. 403 404

छापपी :

संजय ग्रामोपाध्ये

मॉर्सन ग्राफीक्स

फोंडे-गोंय. मोबा. ९३२६१००६२७

मुखचित्र :

अमोल नाळकर

मलचित्र :

कु. सायली प्रशांत बांदेकार

मोल : **रू. १५०.००**

(हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीच्या पयलो चंवर अनुदान येवजणे खाला छापलां.)

कारवाराचें नांव मराठी रंगभुमीचेर अजरांवर करपी आनी मराठी रंगभुमी वयलो प्रतिशठीत 'बालगंधर्व पुरस्कार' प्राप्त केल्ली शेजवाड - कारवारची धूव आनी म्हागेल मानिलें आत्या "**कै. श्रीमती जयश्री श्रीनिवास शेजवाडकर**" हेमगेले स्मृतीक हें नाटक अर्पण करतां.

– संदेश श्रीकांत बांदेकार

सुचना

ह्या नाटकाचे सगळे हक्क लेखका स्वाधीन आसात. नाटका प्रयोग करचे पयलीं लेखकाली लिखीत अनुमती घेवन आनी लेखकाचें योग्य तें मानधन दिवन तेमगेल्या साहित्य कृतीचो आदर करूंक जाय. तशेंच लेखकाचे अनुमती बगर ह्या नाटकांत कसलेत बदल करूंक मेळचे नात. आनी केलेत जाल्यार जी संस्था आनी तेमगेल कलाकार, तंत्रज्ञ हेमचेर न्यायीक कायदेशीर कारवाय करतले. ही सुचना हांव ''कोंकणी संस्कृती मंडळ'' सदाशिवगड कारवार हे आमगेले संस्थे वतीन हांग नमूद करतां दया कर्न हे सुचनेची दखल घेवची ही म्हागेली कळकळीची विनंती.

संदेश श्रीकांत बांदेकार
काजुवाडो, सदाशिवगड, कारवार
581 352.
मो.: **9480790172**

संदेशाची तोखणाय करतना....

माका संदेशालो मेसेज आयलो की माज्या नाटकाक तुजी प्रस्तावना जाय ही माजी तशीच म्हाळशीबाबाली इत्सा आसा. माका प्रस्न पडलो, कारण हांव तर लेखक न्ही. म्हजें कांय साहित्यय ना. हांव एक सामान्य वाचक आनी माजी प्रस्तावना अशी? प्रस्तावना बरोवप हें अणभवी आनी फाकीवंत साहित्यीकालें काम. पूण संदेश कसोच आयकना जालो. ताका म्हजो खूब अभिमान म्हण ताचें मन दुखोवचे न्ही आनी म्हाळशीसराच्या उतराक पाळो दिवचो म्हण 'ल्हान तोंडा व्हड उंडी' घेवची थारायली. नाय जाल्यार संदेशान नाटकांत म्हणिल्लेंच आसा, 'खुदतां खुदतां घाडी जाता' म्हण. देखून हो यत्न करतां. प्रस्तावना म्हण न्ही तर संदेशालें तोखणायेचीं दोन उतरां म्हण.

आपले भाशेची सेवा करूंक आपले भाशेचें पिशें आसूंक जाय. जे भशेन आवयचेर मोग करपी आवय पासत पिसो आसता, तेच भशेन आमचो संदेश बांदेकार कोंकणीच्या मोगान पिसो जाल्लो कोंकणी आवयचो एक पूत. ताचें लेखन धारदार आसता, तशेंच काळजाक पीळ घालपीय आसता. समाज प्रबोधक तशेंच वर्तमानाचेर उजवाड घालपीय आसता. कांय प्रमाणांत खोंचकय आसता. ताणें खूब कथा बरयल्यात, कविता रचल्यात. बिम्ब, जाग, कोंकण टायम्स सारक्या मासिकाचेर छापुनूय आयल्यात. त्यो वाचून जायत्या नामनेच्या लेखकांनी ताची तोखणाय केल्या. बऱ्योच कथा बक्षिसपात्र जाल्यात, जायत्या युवा साहित्य संमेलनांत ताच्यो कथा पयल्या दुसऱ्या नंबरांत आयल्यात. ताणें लेखनांत तशेच कोंकणी उदरगतीच्या वावरांत सातत्य दवरला. कथा, कविता, लेख तो बरयताच, तशेंच धारवाड आकाशवाणीरय तो कोंकणी कार्यावळी दीत

आसता. पूण आज मेरेन ताचें एकय लेखन पुस्तक रुपान आयलें ना, ताचेंच न्ही तर ह्या वाठारांत रावपी खंयच्याच लेखकाचें कसलेंच साहित्य पुस्तक रुपान आयलें ना. तो पयलो मान संदेशाक मेळटा, देखून माका खूब खोस भोगता. ते खातीर गोवा कोंकणी अकादेमीची हांव रिणी आसां.

नाटक पळोवपी रसीक तकले वयलो ताण कमी करचे खातीर येता. पयलीं भशेन तीन तीन तास न्ही तरी वर दोन वरां तरी संवसारांतले जंवजाळ विसरून हांसपाची अपेक्षा बाळगून येता. प्रेक्षकांची अभिरुची आनी अपेक्षा हांचो अंदाज घेवन सुटसुटीत, सोंपें, थोडे प्रमाणांत कौटुंबीक तर चड प्रमाणांत विनोदी जशीं नाटकां लोकांक आवडटात आनी चलतात तशें नाटक बरोवचो संदेशान प्रयत्न केला म्हणून हरकत ना.

कोणाचीय थट्टा मस्करी करची, इल्पां किल्पां काडचीं, कुसां लावचीं, फूस लावन आपली कामां सादोवन घेवचीं, वागण्या नुसार, स्वभावा नुसार, फावो तशो ग्यादी वापरच्यो पूण शेवट गोड जावचो अशेंच हें नाटक आसा.

नाटकांत संदेशान मेजकींच पात्रां, मेजकेच प्रसंग वापरल्यात. दरेका पात्राचो स्वभाव, वागणें, वृत्ती वेगळी. दर एकलो दुसऱ्याकडेन संवाद सादतना आपली छाप दवरता.

आवयभाशेचो अभिमान सोडून उलयतना इंग्लीश वापरची संवय आनी ताका लागून अर्थाचो अनर्थ घडोवपी. आवयगेरचें वंड्र स्वताची तोखणाय, उपकाराची भावना, घोवागेरच्या लोकांचो दुस्वास करपी स्वताचे हुशारेन शिटूकपणान जशे पेशवाईंत रमाबाईन 'ध' चो 'मा' कन्न इतिहास घडयलो तशें उतरांचे खेळीन आपली चली एक पयसो खर्च करिनासतना होड घरांत खपोवन वर्तमान घडोवपी बायल सिता.

बायलेच्या उतरांत रावपी, मूग गिळन घरचीं सगळीं कामां करपी नमतेपण घेवपी, पूण प्रसंगाचेर ज्युस्त काळजाक लागपी ग्यादी-ओपारी वापरून मनांतली चीड आनी ल्हानपणा पासून जाल्ले संस्कार पाळून येता त्या प्रसंगाक तोंड दिवन दीस सारपी घोव राम. हें नाटक दिनेश आनी सुमन ह्या दोन मोग्यां भितर आनी तांचीं दोन घराणीं हांचे भितर आसा. तातूंत पांडू आनी शाणू हीं दोन दुय्यम पात्रां.

संदेशान नाटक बरयतना प्रेक्षकांचे मनोरंजन करतनाच पयलींची रीत सुनेलें भांगर घालून धुवांचें लग्न करप, सरकारी नोकरी आसल्यार बरी फाटल्यान पॅन्शन तरी मेळटा हो स्वार्थ. पयलींचीं उतरां मुगळकी, आदन, सामकेवप (उजो) कल्लेवप, दिबण, आळेण ह्या सारक्या उतरांनी आपले भाशेची गिरेस्तकाय दाखयल्या, तर सुरय-उकड्या तांदळाची भाकरी, हीट-रोस, शेवयो ह्या उतरांनी तोंडाक रूच हाडला. तर हेत्त कापड हेत्त कमराक, खुदतां खुदतां घाडी जाता, बोट दिल्यार हात घेता अशाय जाय त्या ग्यादींनी आनी ओपारींनी कोंकणी भाशेची आनी कोंकणी मनशाची खरी वळख करून दिला. तशेंचं कारवार बीच, मन्सिपालटी गार्डन, गडा वयलो किल्लो, तिळमाती, देवबाग बीच, सुरी बागो या आनी अशा नावांनी प्रेक्षणीय स्थळाची वळखय करून दिला. तेच प्रमाण पोळ्या मेट ते तरंगां मेट, चित्ताकुला ते कद्रा, कारवार धन्न मल्लापुर कैगा पर्यंत कारवारचे हद्दीचोय उल्लेख करूंक तो विसरलो ना. नाटक पळयतना प्रेक्षकांचें मनोरंजन जातलेच तेच बरोबर ग्यादी ओपारी आयकून आपले भाशे वयलो मोगय वाडटलो. नाटकांत खंयच कंटाळवाणे संवाद नात. सुरवात लोकांक आवडटली आनी शेवट लोकांक मानवतलो हातूंत दुबाव ना.

कसल्योच तरेचे साहित्यीक वातावरण नासतना फकत कोंकणी भाशेच्या मोगान आनी मोगाखातीर संदेश लेखक जाला ही खूब अभिमानाची गजाल. अशीच आपल्या आवयभाशेची सेवा करूंक आवश्यक आशिल्लें बळ, शक्त, उमेद उर्बा दिवन देव तागेले जिवन सूख, शांती समाधानान भरूं अशी देवा कडेन मागणी.

- उषा राणे

अध्यक्ष, कोंकणी संस्कृती मंडळ

सदाशिवगड, कारवार

09448947129

म्हागेलें मनोगत

''बायल मागेलें हुशार'' हें मागेल पयलेंच नाटक, आनी तें बी इतले बेग्गीं पुस्तक रुपान येता म्हण माका कोण नमन्यान खुशी जाता हे सांगच्याक माका शब्द सुचनात. जेन्ना गोवा कोंकणी अकादेमी कडल्यान म्हाका पत्र येयलें की तुमगेलें हातबरप पुस्तक रुपान छापचे खातीर ''पयलो चंवर'' हे येवजणे अंतर्गत मान्य जालां, म्हाका खूब खोशी जाली. ह्या पयलीं म्हागेली कथा, कविता गोंयच्या कोंकण टायम्स, जाग, बिम्ब ह्या सारक्या मासिकांत छापून येयल्यात, आनी येतेत आसात. तरी पुस्तक रुपान येवचें हें नाटकाचें पयलेंच पुस्तक.

कारवारचे उत्सवी रंगभुमीक मराठीची व्होड परंपरा लाभिल्ली आसा, आनी त्या कारणान पयलीं सगळे कडेन मराठी नाटकां खूब जातालीं. आनी आज कारवार तालुक्यांत जो उत्सवा आरंब जातना मराठीच नाटक वा खेळान जाता. तरी कांय वर्सां फाटीं धन्न शाळा कॉलेजाच्या वर्सुक्या संमेलना वेळार तत्पुरती कांय जायना, कोंकणी एकांकी सुरू जाली, आनी आतां तो जागो तीन तासांच्या कोंकणी नाटकान घेतला. आज ह्या वाठारांत एका एका लेखकांली नाटकां 50/50 प्रयोग करूंक लागलात. तरी कारवारची रंगभुमी ही बाळशे अवस्थेंत आसा, कारण गोवा कोंकणी अकादेमी आनी कोंकणी संस्कृती मंडळ हेमी कोंकणी नाट्य लेखकांक एक शिबीर आयोजीत केल्लें. त्या शिबिरांत मार्गदर्शन खूब बरें मेळ्ळें आनी गोंयच्या नाटका कडेन आमगेल्या नाटकाची तुलना केल्यार आमी अजून खूब फाटीं आसात तरी लेखनांत आनी दुसरे बाबतींत कारवारच्या कोंकणी नाटकाची परिस्थिती बरी आसा अशें म्हणच्या जातलें.

आज कारवारांत जास्त विनोदी नाटकाची चलती आसा. आनी हांवें बी तोच प्रयत्न केला. ह्या नाटकाचो फक्त एक प्रयोग जाला तरी पुस्तक रुपान येता म्हण परती खुशी आनी एक म्हणलार आमगेल नाटक कोणी प्रयोग करूंक व्हरतात आनी तेतूंतले कांय संवाद, प्रवेश चोरन घेवन नवें नाटक तयार करतात, आनी हें पुस्तक येयल कारणान अशें मुखार घडचें ना. ह्या निमित्तान लेखकांक न्याय मेळटलो.

कारवारच्या कोंकणी नाट्यक्षेत्रांत मागेली खूब मित्रमंडळी आसात तेमी म्हाका खूब मजत केली. एक तरी नाटक बरय, आमी मुकारले सगळे पळयतात म्हण. तेमगेले वत्तायेक हांव हें नाटक बरोवंक पावलों म्हणलार हरकत ना. आनी सगळ्यांत मुख्य म्हणलार म्हागेलें एक तरी पुस्तक छापून येवचें अशी इत्सा मनांत धन्न आशिल्ली आमगेली उषाताई. प्रत्येक दादलो जिवनांत यशस्वी जातल जाल्यार एक बायल फाटल्यान उरूंक जाय अशें म्हणटात. मागीर ती बायल मनीस आवय, भयण किंवा धर्मपत्नी उरुं दादलो मुखार पावता. म्हागेल साहित्य क्षेत्रांत आधारस्तंभ उषाताई. कारण कोंकणीचो खंयचोय कार्यक्रम उरूं ताईलें माका आमंत्रण. ह्या कारणान म्हागेल्या लेखनाक खूब प्रोत्साहन मेळ्ळे. मुंबय ते कोची पर्यंतच्या कोंकणी लेखकाल्या हांव संपर्कांत येयलों.

जेन्ना ताईक सांगलें की हें पुस्तक आमी गोवा कोंकणी अकादेमीच्या 'पयलो चंवर' येवजणेक धाडून दिवया तेन्ना ताईन तें माका स्वता टायप कन्न दिलें. आनी आज हांव लेखक म्हण मुखार येतां. तें ताईल्या आशिर्वादान.

हे पुस्तक तुमगेल मुखार येवूंक आधार केल म्हण गोवा कोंकणी अकादेमीच्या सगळ्या कर्मचाऱ्यांक हांव देव बरें करूं म्हणटां. म्हागेल्या ह्या पुस्तकाक ताईन प्रस्तावना बरयल्या आनी म्हाका परत एक पटी आपल्या रिणांत दवरला म्हण काळजांतल्यान हांव उपकारी आसां. मागेल्या नाटकाची समिक्षा आनी कांय म्हत्वाच्यो सुचना केल्ले खातीर श्री. कमलाकर म्हाळशीसरालो हांव सदांच उपकारी रावतलों.

ह्या म्हगेल्या नाटकाक पुस्तकरूपान छापून हाडपा खातीर, खूब सुंदर आनी गोड मुखपृष्ठ दिल्ले खातीर मागेल मित्र, निर्माणचे संपादक, श्री. सिद्धेश कामुलकार आनी कर्मचारी वर्ग हेमगेलो बी उपकारी आसां. पुस्तकां भायले वाटेन म्हागेल फोटो काडिल्ले मागेल भाची, कु. सायली बांदेकार हेगेलो बी हांव उपकारी आसां.

मागेले पयलेंच नाटक आनी पयलेंच पुस्तक तुमगेल्या हातांत ओंपतना माका खूब खोशी जाता. ह्या नाट्यलेखनांत कांय त्रुटी, चुकी आसल्यार माका मुद्दाम सांगच्यो, कारण तुमगेल्यो सुचोवण्यो माका मुखार आनीक लेखन करूंक प्रोत्साहीत करतल्यो अशें मागून परत एक पटी तुमकां सगळ्यांक देव बरें करूं म्हणटां....

- संदेश श्रीकांत बांदेकार

काजुवाडो, सदाशिवगड,

कारवार (उ.क.)

प्रकाशकाचीं दोन उतरां

कोंकणी भास एक गिरेस्त भास. कोंकणी भाशेचो विकास कितलो जाला हें अभ्यास केल्यार समजता. हे भाशेक सदांच संघर्श करचो पडला. संघर्शी बगर कांयच सोंपेंपणान मेळूंक ना. संघर्शा उपरांत जीं जैतां मेळ्ळ्यांत त्याच जैतांक लागून कोंकणीक जायते भोवमान फावो जाले. कोंकणी भाशेक एक व्हडवीक म्हणल्यार कोंकणी मनीस जगभर पसरिल्लो आसा आनी कोंकणीचो जायत्यो बोलचो आसात. ह्यो बोली भासो तिगोवंक त्या त्या वाठारांतले लोक झुजत आसात. ह्या झुजांत कोंकणी मनीस आपले पध्दतीन जाता तितकी मजत कोंकणी खातीर दिवंक यत्न करता. हो यत्न करतना जायतें कोंकणी मोगी साहित्य रचून कोंकणी भाशेची अस्मिताय वाढयत आसात. दर एकल्याची बरोवपाची खाशेली शैली आसा आनी तो मनीस या खाशेलपणान साहित्य रचता.

साहित्य रचपाचो वावर फक्त गोंया पुरतो मर्यादीत ना. कोंकणी साहित्य रचप पुराय कोंकण-कर्नाटक आनी केरळांत चालूच आसा. ही साहित्य रचना अखंडपणान चालू आसा. कोंकणी बोली भाशे वाठार बदलत वतत तश्यो वदलत वतात. पूण जायत्या वेळार गोंयचे साहित्य केरळांतल्या वाचप्याक समजना आनी तशेंच गोंयांत जें बरप जाता तें तांचेमेरेन पावना. हो दुरावो पयसावपाक निर्माण प्रकाशन सुरू जालें. हो दुरावो उणो गरजेचें. प्रामाणीकरणां उपरांत भास समजूंक सोंपें जातलें. पूण प्रामाणीकरण करतना दर बोली भाशेंतली कांय विशिश्ट उतरावळ सांबळप गरजेचें, कारण जायत्या खेपे ठरावीक उतरांनी त्या बोलींची गिरेस्तकाय वाडटा.

अशीच एक बोली भास म्हणल्यार कारवारची बोली. कारवार भाग तसो राजकी नदरेन कर्नाटक राज्यांत आसा. पूण भाशीक नदरेन कारवार हो कोंकणी प्रदेश. ह्या कारवारांतली कोंकणी फामाद. तांची उलोवपाची पद्दत घडये गोंयकारां परस वेगळी पूण गोंयकारांक समजता आनी त्या बरोवपाचें खाशेलपण आमकां ह्या पुस्तकांत वाचूंक मेळटा. कारवार वाठारांतलो संदेशबाब बांदेकार हांच्या 'बायल म्हागेल हुशार' ह्या नाटकांतल्यान कारवारचे कोंकणी बोलयेची आमकां प्रचिती जाता. ह्या नाटका विशीं खोलायेन उषा राणे हांणी आपणाले प्रस्तावनेंत बरयलां. वाचप्यांक मुजरत हें पुस्तक आवडटले, हो हावेस हांव दवरता.

- सिद्धेश कामुलकार

मंगेशी, फोंडे, गोंय

बायल म्हागेल हुशार

ह्या नाटकाचो पयलो प्रयोग श्री कोल्हापूर निवासीनी जगदंबा महालक्ष्मी देवस्थान, शेजवाड, कारवार, हे सुवातेर वर्सुक्या रामनवमी उत्सवा निमित्यान जात्रेंत ता. 19-04-2013 दिसा कोंकणी संस्कृती मंडळ, सदाशिवगड, कारवार हेमगेल वतीन सादर जालो. ह्या आरंभाच्या प्रयोगाक योगदान दिल्ले कलाकार आमी मान्यवर अशे आसात.

पात्र परिचय

राम : विष्णु आर. कोगळेकर, अस्नोटी
सीता : चंद्रकांत नाईक, केरवडी
दिनेश : मनोज नाईक, हुळगा
सुमन : सौ. प्रेमा काणकोणकार, काणकोण
शाणू : दिनेश नाईक, कणसगिरी
रमाकांत : सुरज नागेकर, अस्नोटी
पांडू : कमलाकर गुनगी, हुळगा
दिग्दर्शक : विष्णु आर. कोळगेकर, अस्नोटी
संगीत : प्रदीप महाले (हार्मोनिमय)
प्रभास गडकर (तबलो)
पार्श्वगायन : दिपक परवार आनी सौ. दिव्या परवार, हणकोण.
नाटक मॅनेजर आमी शब्द सुचक : संदेश श्रीकांत बांदेकार, दीपक परवार.

विशेश उपकार :
श्री. संजय लोलयेकार, शेजवाड
श्री. गजानन राया शेजवाडकार, शेजवाड

वेवस्थापक :
श्री कोल्हापूर निवासीनी
जगदंबा महालक्ष्मी देवस्थान
शेजवाड - कारवार

रामाचें घर

(प्रवेश 1)

राम : (सामान्य मनशालें घर, घरांत राम पेपर वाचतेर बसला. वय 50/ 55 वेळ सकाळची) अगो ये, आयकल हय गो? कितलो वेळ जालो. आपोवन, आपोवन ताळो सुकून गेलो. तेतुंत आनी बरें आसा तोंड चामड्याचें म्हण, मातेचें जाल्यार येन्ना फुटून गेल्लें. तरी ही महामाया भायर सरना. कितें करता काय भितर इतलो वेळ? सकाळीं तर सगळीं कामां हांयें केलात, आनी आतां मातर पेपर वाचूंक बशिल्लों, (व्हडान) अगो ये, आयकल हय गो, भायर यो बेग्गीं.

सिता : (मध्यम वयाची बायल येता, खांदार पर्स, हातांत ताट, केंसां आंबाडो आसा) कितें जालें? कित्या अशें बोंबले देठांतल्यान आड्डतात? काय बरें हांव तोंडाक मातर नॅशनल लावन बशिल्लें. तर भायर ह्या दादल्याली बोब सुरू. ओग्गी तरी रावता? हाव येयलें ना म्हण, ना.

राम : अगो बाये ते नॅशनल न्ही फेशियल. सोंडेक कितें लायतात. तें खबर ना, तर कित्या लावचें? (स्वगत) कावळ्याक दुदांत न्हाणयलो आनी चुन्यांत लोळयलो तरी काळो तो काळोच. हें सोंग केन्ना सुधारचें आसा?

सीता : कितें? कितें? पुटक्न, मिशातल्या मिशात? आं, आनी येदोळच्यान कित्याक बोब मारताले ? कितें कारवार गांवांत सुनामी येयली काय भुकंप येयलो?

राम : अगो बाये, म्हाका इल्ली च्या मेळत काय म्हण हांव तुका आपयतालों, कळ्ळे?

सीता : बाये, बाये, बाये ह्या दादल्याकडेन दीस काडची आनीक माणसुकी ना. सकाळीं येदो व्होडलो (हातान दाखयत) पेलो च्या घोंटला मूं आनी तुमकां च्या जाय? काम ना धंदो, उठसूठ च्या आनी तिनी मायत्याक भूस मारल्यार जालें तुमकां.

राम : अगो सकाळीं पिलां, कोणें ना म्हटलां, तोंड मागून येयलां म्हण इल्ली च्या कन्न दी म्हटलें. आनी घोवाक इल्ली च्या कन्न दिवंक तुका कितें जाता तर?

सीता : हांव आतां च्या करचें ना सांगतां तुमकां. तुमी कन्न पियात. आनी पिते बसतलें जाल्यार कोळशांत ना तर भाणांत भन्न दवरात. (चाळयत) तोंड मागून येयलां म्हण मागीर पिते बसा.

राम : (लाडांत येवन) म्हागेलें भांगर तें, इल्ली च्या कन्न हाड पळया.

सीता : थुमेकाल, कितें म्हटलें भांगर, आनी कितले कॅरेट? हांव आनीक भांगर केन्नाच्यान जालें बाये? हे बाये आनीक कितें नवीनच? हो दादलो बरो आसा मूं तकलेन. (हात दाखयत) हेजी कांय हेमकां संवंय ना. हें आनीक कितें काय?

राम : हय, हय तर? तूं तर म्हागेलें भांगरच.

सीता : हळू उलयात. हांगा लोक जमिल्ले आसात. हांव आनीक भांगर म्हण कळळ्यार म्हाकाच उखलन व्हरत. पयलीं भांगर 30 हजारांनी तोळो जाला खंय. (लजत) तेतूंत हांव आनीक कम्मी म्हणल्यार 70 किलो तरी उरतले न्ही हो. मागीर तुमीच विचार करात आनी हिशोब घालात म्हागेली किंमत कितली ती ?

राम : हय गो म्हागेल्या भांगरा. म्हाका इल्ली च्या मेळत?

सीता : हूं येयली गाडी मूळ पदार! हे पळय हाव विसन्न गेलें. हे पयलीं तांदूळ विंचा आनी भायर पडवेत आदन दवरलां. हे तांदूळ विचून धुवन त्या आदनांत घालात. आनी मागीर जाय तितलो च्या कन्न घोंटात. आनी च्याच्या नादांत उजो सामकोवंक विसरनाकात. पेज मातर मुगळकी जावं . घट्ट जेवंक जायना.

राम : आनी म्हाका च्या गो? इल्ली कन्न दी न्ही.

सीता : तुमकां कसली धाड भरला च्या करूंक? बायलेनच कन्न दिवंक जाय म्हण आसा? हांवें सांगिलें काम पयली करात आनी मागीर च्याचें पळयात. आनी सांगतां तुमकां च्या दुदाची करूंक जाय म्हण ना. सकाळीं पिला तो पुरो. आतां अर्क कन्न पियात. जिवाक बरो तो. आं, आनी साकर कमीं घालात. गॅस बारीक पेटयात. सिलिंडर पयलीं म्हारग जाला. चोरयेन कितलेय सिलिंडर मेळटात आमगेल्या गांवांत, पूण बूक करूंक गेल्यार मात म्हयने म्हयने वाट पळयतेर रावूंक जाय. म्हण सांगतां तुमकां.

राम : (पांय पडत) बरें म्हागेल सायबिणी, कळ्ळें : करतां सगळीं कामां.

तरी म्हाका सांग सकाळीं खंय सुटलें तूं ? संघा मिटिंग बी आसा काय किते गो?

सीता : हांव.... हांव (लजत) हांव मातर कुटी पारराक वचून येता.

राम : खंय खुटे परबेक? ती पयर जाली न्ही गो?

सीता : खुंटे परबेक न्ही. कुटी पारराक थंय नॅशनल करतात, केंस टेट करतात. केंसांक काळें लायतात. थंय कारण म्हाका केंस टेट करूंक जाय कळ्ळें?

राम : कळ्ळें, पाड पडूं तें. अगो तें कुटी पारर न्ही गो, ब्युटी पार्लर. सादे कोंकणींत सांगूंक कळना केंस सरळ करूंक वेतां म्हण, अगो इंग्लीश कळना तर कित्या उलयता?

सीता : म्हाका इंग्लीश कळना जाऊं. एक लक्षां दवरात तुमी हेत कमरेक हेत कापड उरना. आनी खुदून खुदून घाडी जाता तें तुमकां खबर ना दिसता..

राम : अगो पापणी तो आनीक, धंदो सुरू करनाका. हे लोक आमकां चपलान मारत.

सीता : (तापत) तुमी ओग्गी रावा पळोवया. हांव उलयिल्लें अर्थ जायना तर कित्याक उलयतात? हांव वचून येतां. सांगिल्लें तें काम करा. (लागीं वचून लाडात) आनी आयकलें! (लजता)

राम : हांव आतां आयकते आसा न्ही. (स्वगत) हेका सकाळींच मूड बी येयला कांय कितें?

सीता : (लाडांत) हय... आयकया न्ही.

राम : (अधीर जावन) सांग, सांग, बेग्गीं. घरांत तर आमचे शिवाय कोण ना, सांग गो सांग, बेग्गीं सांग.

सीता : घरांत कोण ना म्हणत सांगतां न्ही! आयकया न्ही. भायर पडेत वाळीभाजी दवरला, मातर शिंदून दवरा आनी बारीक कोंडी आसात 500 तीं मातर कल्लेवन दवरात..

राम : (बोडार हात मारीत) आनी आळेण वांटचें ना?

सीता : नाका, नाका. तें हांव येवन मिक्सरार वांट्टां.

राम : आतां मिक्सरार वांटल्यार तुका करंटा बील येना गो ?

सीता : कांय जायना येयल्यार हां, तुमी गप्प रावा.

राम : कांय जायना? तर सकाळीं पोळ्याक म्हाजेकडल्यान रगड्यार कित्याक वांटून घेयलें?

सीता : (रागान) कांय जायना, कसली धाड भरता तुमकां रगड्यार वाटल्यार? तुमगेली आवय म्हण्ल्यार म्हागेली मामी तुमकां सांगतां. सकाळीं नसकांत सुरय आनी उकडे तांदूळ, दनपारां पेजे बरा शाकेक, तशेच निस्त्याकड्येक रातीन रगड्यार वांटून घेयना आसली? तशें कन्न घेवन, हो दावो हात (ॲक्शन कन्न दाखयता) सकाळ सांज आनी रातीन न्हिदेंत सुद्धां गोल गोल फिरते रावतालो. तें विसरले दिसता तुमी न्ही?

राम : कसो विसरन? हो धिपळ्या येदो हात रातीन न्हिदिल्ले कडेन मजेरच पडताल न्ही. तो हात काडून उडयत तर म्हागेलो रातीचो दीस जातालो, हें म्हाका कळचेंच नाशिल्लें.

सीता : गप रावात. हे लोक आयकतात, मातर अब्रू तरी धरा.

राम : कितेंय जाऊं, त्या सुरय उकड्या तांदळाची वांटून केल्ली भाकरी बरी लागता न्ही गो, आई गेली आनी आई फाटल्यान ती भाकरी बी गेली. (लाडान) ये भांगरा, म्हाका एक दीस कन्न घाल न्ही तसली भाकरी (तोंडाक रूच काडता) पळय कशें तोंड मागून येयलां. फाल्या कन्न दिता? भांगर तें म्हागेलें.

सीता : भाकरी खातल्यालें तोंड पळयात. शेवी आनी रोस नाका? आनी हय, हीट उरले मूं.

राम : हय न्ही. याद ना गो म्हाका. हें सगळे केन्ना करता! पळय गा तोंडाक लुती येयली.

सीता : हयी, ती लुती पयलीं गिळन घेयात. भाकरी जाय खंय, भकेक घालूंक फक्त उठसूठ गिळचें पळयात. लोकाले घोव पळया आपले बायलेक कितले कामांत मदत करतात ते. आनी तुमी आसात. सांगले शिवाय कड्ये वयले बड्येर काडनात. पयलीं मामेन खायलें आनी आतां तुमी म्हागेलो जीव खायात (दोळ्यांक पदर लावन रडता)

राम : अगो बाये! आतां तुका रडूंक कितें जालें? हांवें कितें म्हटलां? उंलयिल्लों आंगार येयलें बाबा.

सीता : हांये उंलयिल्लों दिसता, तुमी कितेंय केल्यार जाता. फाल्या परां चलेले शिकून जातलें. तेका बरो चलो पळोवन लग्न करूंक जाय. आनी पूत बापडो गोंयां नोकरेक आसा. तगेले थंय हाल जातात. आनी तुमी आसात फक्त च्या आनी चकाट मारते रावल्यार जालें. ना काम ना धंदो.

राम : अगो बाये पुरो कर तें तुगेलें पुराण. पुराणांतलीं वायंगी तीं, तीं आनीक सकाळ पारार कित्या भाजता? ना भरत करूंक जायना, ना भाजी करूंक जायना. फक्त तोंड आसा म्हण उलयल्यार जालें?

सीता : (रडत) काय बरे बरे चले म्हाका सांगून येताले. म्हाका, ना पूण बाबान हें खोड गळ्या बांदलें. हें खोड बांदलें तरी हरकत ना, ह्या खोडां बरा एक कैदाशीण आनी दोन खोकानकी गळ्यांत पडल्यो. आत्तां कुळारा गेल्यार सुद्धां बाप्पाल्या ट्रंकांत त्या येयिल्ल्या चल्यांले फोटो तुमकां मेळतले.

राम : मागीर तेमचे बराबर जालें ना कित्याक? तुगेलोच बाप्पा नी? आमगेर येवन येवन चप्पल झरयत आशिल्लो?

सीता : तेंत चुकलें न्ही. पोर गांवांत रावतलें, आनी दोळ्यां मुखार उरतलें, म्हण तुमगेल्या घरची वाट धरची पडली म्हागेल्या बापायक आनी तेजें फळ हांव आज पर्यंत भोगत आसां. म्हाका दिसतालें, लागीं उरल्यार बरें परत परत आवोगेर वचूंक मेळतलें म्हण. पूण ना, देवान मामी दिली ना रे बाबा काळ दुस्मानाक सुद्धां नाका असली मामी दिवची हाय रे देवा, खायलें खायलें म्हाका तिणें. देवा असल आनीक मामी कोणा दिनाका.

राम : अगो ती बडी मन्न सर्गार पावली, आनी तिका कित्याक सवता?

सीता : ती आनी सर्गार? ती मेल्ली नर्कांत सुद्धां पावली उरची ना. म्हागेली बिरमत फुट्टली तिका. म्हण प्रत्येक उमाशेक वाडेक कावळो तोंड लावंक सुद्धां भिता.

राम : आसूं गो तें आतां. तुगेलें हें पुराण आनी ह्या लोकांक आयकय नाका, बेजारतले तेमी.

सीता : लग्न जावचें पयलीं काय बरें आशिल्लों हांव मोगरे फुला म्हणकी, लग्न जाल्ले म्हयन्यांतच बाविल्ल्या ओंवळां फुला म्हणकी जालें.

राम : वय जातेरी जाता तशें. आतां कितें तूं 16 वर्सांचें आसा तर?

सीता : आनीक म्हागेलें तोंड उगडूं लाय नाका, सांगतां तुमकां. तेल काडच्य घाण्याक लायिल्ल्या बैलां म्हणकी मामी म्हाका घोळोवन घेताली. तेन्न तुमगेल्या तोंडाक मौनी मारिल्ली न्ही! आतां बायले कडे पटुपु उलयतात. तेन्ना ना म्हण आपल्या आवोक कांय सांगूं जालें ना. केन्न तरी जाप विचारिल्ली तुमी आवोक? माऽऽर उलयतात.

राम : हां....हां... हांव बापडो तिका आनीक कितें सांगतलो?

सीता : आतां हां... हां.... कितें करता? आतां ती ना तरी तिगेलें नांव काडलें कि हो दादलो भिवन मरता. आनी सांगतां तुमकां म्हागेल्या बाप्पान लग्नाक मेजून साडेबत्तावन तोळे भांगर घातिल्लें म्हाका.

राम : तें कितें हांव घालन मिरयता तर? तूंच घालन्न मिरयतालें न्ही ती तुगेल्या बाप्पाली मिरास!

सीता : म्हागेल्या बाप्पान मिरास दिला म्हण त्या दोन शिगम्या सोंगांलें लग्न जालें न्ही? तुमकां सांगूक याद नां (लोकांक) ह्या घरांत हांव लग्न जावन येयलें तेन्ना दोन शिगम्या सोंगां आशिल्लीं. तेमकां शिगम्या सोंग म्हणल्यार सुद्धां शिगम्या मांडा वयल्या देवाक राग येतलो. ह्या भावाक दोन भयणी, देवा ऽ भयणी न्ही त्यो खोकानकी. लग्न जाऊंक कोण तयार नाशिल्लो. तरी भांगर घालन दितात म्हण कळतरे कोणाकोण तयार लग्नाक जाले. नातर मामे फाटल्यान तेमी दोग जाण म्हागेली आनीक कितें हालत करता आशिल्लीं देवा खबर. तेमचें केन्ना बरें जायना. तुमचे नांवां उजो लागू बेगी.

राम : (व्होड आवाजान) सिते! तोंड सांबाळन उलय, आनी ओगी राव पयलीं. हांव गप्प रावतां म्हण तुगेले जास्ती जाऊं लागलां. म्हाका कितें, म्हागेले आईक आनी भयण्यांक कांय म्हण नाका. पयलीं सांगून दवरतां. तेमकां आनीक परत कितें म्हणल्यार म्हाजे इतलो वायट कोण ना. आई बडी मन्न गेली, आनी भयणी बडयो लग्न कन्न घोवागेर गेलात, तरी तुगेले तेमकां शाप घालचे सरचे नात मुगो.

सीता : हयी! म्हाका धमकी दिता? हीच धमकी तुमगेल्या आवोक म्हाका त्रास करतना दिऊं जाली ना? तेन्ना तुमगेल्या तोंडाक वारो मारतालो न्ही? ती गेली वयर, आतां हांवें कितें म्हणल्यार तिका खंय आयकतां? तुमकां

भयण्यांलीं इतली कळकळ कित्याक? त्यो एक भाव आसा म्हण केन्ना नजर घालनात. तरी भयण्याले वंडर गायतां हो दादलो. आनी सांगता तुमकां (लोकांक), एक भाव आसा म्हण राखी परबेक एक सूत बांदूंक वा धाडूंक तरी गत आसा काय म्हण पळय तेमकां. कितें वंडर गायता भयणीलें. वाऽऽ भाव आसचो तर असो! पळया. खंचे तोंडान येतल्यो त्यो? आतां हो भाव तेमकां गरीब दिसता. म्हागेले साडेबत्तावन तोळे भांगर कडयलें. आनी आतां हिंगा येयल्यार काम करचें पडता न्ही, भावा बरा? म्हण येनात, बोडकां पयलीं मार म्हाराणीं कशीं येतालीं, आवो आसतना. येयली की सुरू ऑर्डर करूंक. कोणी दुश्काळांतल्यान बी येतात पळय तशें गिळूंक 'हाड व्हर पोट भर' ह्या नमुन्यान गिळताल्यो. आतां येया म्हणा तेंमकां हांगा. (स्वगत) आनी तुमकां म्हण सांगतां हांवेंत बंद केलां तेमकां हांगा येऊंक, ह्या सोंगांक खबर ना तें (उगड) माजराली सटी आनी कुकुडशाल्या बारशाक रजा उरल्यार सुद्धां आवोगेर धांवन येताल्यो म्हागेल्या हड्ड्यार बसूंक. पयलीं आवयले बदीक आशिल्लें. आतां कित्याक येनात? भाव आसा काय ना म्हण. आनी आतां उलयात मूं. आतां कित्या वाचा बसली तुमगेली?

राम : तुका सांगल्यार कळना गो एकपटी, तेमकां कांय म्हण नाका गो.

सीता : कांय म्हण नाका? तेमगेल नांव घेतल्यार तळपांया उजो मस्तकाक मारता, खोकानकी म्हण बऱ्यो. कोण व्हन्ना जावन आशिल्ल्यो. म्हागेल पुराय भांगर तेमगेल हड्ड्यार घायलें. तेन्ना मात घरांतलीं भायर पडलीं. नातर मामे फाटल्यान तेमी उरता आशिल्लीं, म्हागेलो जीव खाउंक.

राम : आसूं गो तें आता. सर्पा म्हणकी आनी कितले दीस दावो धरन रावतलें? आनी हेत किर्तन कितलें वर्स करतें उरतलें?

सीता : किर्तन? तुमकां सांगूंक कितें? हांवें भोगला तें देवा! काळ दुस्मानाक सुद्धां नाका रे. तरी त्या यमालें देव बरें करूं, म्हागेलें दोन वर्सां आयुश्य तेका बडया लाबूं.

राम : किता गो तुगेल आयुश्य सगळे सोडन यमाकशें लाबूं?

सीता : हय, त्या बडयान दया केली म्हण मामी बेगी गटक जाली, आनी आतां आसल्यार म्हाका कोबा चिपा मणकी पातळ करता आशिल्ली. हांवें आनी विचार केल्लो, ही महामाया म्हाका लया पावोवनच वयतली म्हण. जाऊं

देवान जरी म्हागेलें सांगणें, मागणें आयकलें. ना तरी त्या यमान म्हागेलें मागणें, मागनासतना आयकलें. बरी तळसफळी अशी घटमूट बायल यमान एकदम गटक केली. यमा व्होड उपकार रे बाबा तुगेले. बरो कन्न उरूं बडो यम.

राम : अगो बाये परत परत तेंच तेंच झरयनाका म्हागेल कान किटकिटतात.

सीता : हय ! तशें जाल्यार शिंशें कडोवन घाल कानात.

राम : तुजे कडेन आनीक उलोवन कांय फायदो ना. (स्वगत) पुराय मुळाकच हात घालता ही बायल.

सीता : माऽर तुमगेले आवयन सांगिलें न्ही, आपल्याल पूत व्होड ऑफिसर म्हण (लोकांक) तुमकां सांगतां ऑफिसर खिंचो? तर ऑफिसरा फाटल्यान हय सायब, ना सायब कन्न धांवचो शिपाय हो मागेल गळ्यांत पडलो.

राम : मागीर कित्या लग्न जालें तूं म्हाज बरा?

सीता : कितें करूं. सरकारी नोकरी. आनी गांवचे गांवांत उरतलें म्हण. बाबाक हय म्हणचें पडलें. आनी मागीर पॅन्शन आसाच न्ही, म्हयन्या म्हयन्याक?

राम : आं म्हणलार, तूं आतां हांवें मरचीं सपनां बी पळयता कितें गो? अरे ऽऽ देवा (बोडार हात घेता)

सीता : हांव कित्याक स्वप्न पळयतलें? हांवें म्हाका जें दिसता तें सांगलां. आनी आयचे चलयांक सांगतां तुमकां, पापणींनो खयी लग्न जावन वचात, पूण गांवचे गांवांत मात जाय नाकात, कारण हांवे काडिल्ले अशे त्रास काडचे पडतले. आनी एकाद्री जालें! आनी करकर करतले माम मामी मेळ्ळे, तर आपआपल्या घोवाक घेवन खंयीय पयस वचून रावात. नातर असल्यो मामी मेळ्ळ्यार, तुमकां आनीक दवरनात. तेन्नाचो काळ आतां ना बाये, आतां मामी बी टिवी वयली धारावळी पळोवंक लागल्यात, कारण आतांच्यो धारावळी घर जोडच्यो उरनात, फक्त घर तोडच्योच उरतात. अशें कन्न घेवन ह्या मामी लोकांले सुने त्रास करचे संवसार जाता. आनी हां तुमकां म्हण सांगतां, (स्वगत) आमगेले दायज्या गोत्र्यांगेर सुद्धां तुमी सोयरीगत सोदूंक वा प्रेम करूंक वचनाकात हां!

राम : अगो अशें मनमनांत किदें उलयता गो?

सीता : कितें म्हणले ?

राम : कांय ना, हांव बडो कितें म्हणतलो ? म्हणचें सगळें तुवें आनी आयकुचें मात हावें.

सीता : हयी, तोंड पळयात आयकतल्यालें. म्हागेल आयकतात खंय. आयकल्लें जाल्यार आयज म्हागेली अशी दशा जायनाशिल्ली. तुगेल आवयन आनी त्या दोनी खोकानकीन म्हाका लंके पार्वती करन सोडलें. साडेबत्तावन तोळे भांगर म्हणल्यार थोडें जालें? आतां ह्या दिसात पुराय कारवार गांवाक विकत घेऊंक जातालें, पूण ना, ते कैदाशिणीन म्हागेल भांगर काडन त्या धुवांलें हड्डें हून केलें. आतां म्हाका पळया, नकली भांगर घालन फिरचें पडता. तेमचें नांव जळूं बेग्गी.आनी स स म्हयन्यान त्या गडा वयल्या भटाल दुकाना वचून हाडचीं पडतात. त्या दोनय खोकानकींक म्हागेली बिरमत फुट्टली. हो आनीक दादालो सांगता, येयल्या गेल्ल्या लोकांक आमी घरंदाज आनी इस्टेटदार लोक म्हण. इस्टेट आनीक कसली? सांगतां तुमकां, सुकील बोंडे, सोण्णा, चुडटां, आनी पिराडे. नाल्ल हेंगेल कर्मान उंदीर जाऊं दिनात. माऽर वंडर सांगलार जालें, आमी इस्टेटदार म्हण.

राम : (स्वगत) ही भागरत उलयल्यार आंगार येता. (उगड) अगो तूं कुटी पार्रराक, पळय म्हाका सुद्धां आतां तुगेल म्हणकी म्हणच्या येता, म्हणल्यार तूं ब्युटी पार्लराक वचना? आतां वेळ जायना तुका? आतां वयतले आनी दिवेलागणेर घरांत घुसतलें. देवाक आनी तुळशीक वात लावूं जाय. अरे! आनीक विसरलों. एक आज ब्रह्म्याक आनीक वात लावूं जाय न्ही गो?

सीता : कांय जायना एक दीस तुमी वात लायल्यार. लोकाले घोव पळया तेमगेल बायलाक घरांत कसली कसली मदत करतात ते. आनी देवा दिवे लावचे काम बायलानत करूं जाय म्हण खंयी करार केल्लो ना. मातर हातपांय घोळयात, तुमगेल्याच जिवा बरें तें कळ्ळें? रवाण्या बशिल्ल्ये कोंबये म्हणकी घरांतच बसून रावं नाकात.

राम : तुवें म्हाका बसूंक दिल्यार न्ही. कपडे उंबळन घेतां. वांटून घेतां. येळ पडल्यार आयदन घांसून घेतां. इतलें कित्याक? तूं अशें गांवार कांटे विंचूंक गेले तेन्ना बाकीचीं सगळी कामां करचीं पडटात, म्हाकाच न्ही. हांव बसना हां, त्या रवाण्या बशिल्ल्ये कोंबये म्हणकी.

सीता : तुमी खूब उलयनाकात. बरें दिसना काम केलें म्हण सांगतात तें. लोकांगेर केलें ना मूं, घरांतच काम केलें न्ही? तितलेंच पुरो. आमी इतलें घरांत काम करतात, तें आमी कोण सांगूं वचनात. आज आनीक खंय पावलो तो तुगेल दोस्त, तो आनी आसा मेल्लो मायत्याक दोन पटीं येता, च्या घोंटूंक.

शाणू : (भायल्यान आवाज) ये रामा, जालीं तुगेलीं कामां? आसा हय रे घरांत?

सीता : पळयलें? मेल्ल्यालें नांव घेतलें, मेल्लो हजर दारांत, येवुं ताका आज समा दाखयतां ह्ये सितेली करामत. मेल्ल्याक कितलेय सांग, अब्रू म्हणटा ती ना.

शाणू : (प्रवेश करत, वय वर्स 50, माथ्यार तोपी. धोतरजोडो अशें कपडे) अगे, व्होनी बी आसा मगे घरांत.

सीता : (मातर रागान) घरांत आसा तर, आनीक खंय दारांत रावचें? मागेल घरांत हांव आसां. लोकाल बायलां म्हणकी दारांत रावन पळयना कोणागेर कोण येता कोण वेता म्हण हां!

शाणू : (स्वगत) आज ह्ये गांवभवानील्या तोंडांत पडलो दिसता. (उगड) कांय ना गे व्होनये. सदांची सवय न्ही, भायल्यान जाप केली, आज गेल ना हय गे?

सीता : खंयी?

शाणू : तूं सांजेर अशी वॉकिंगाक वयता न्ही गे? म्हण विचारलें.

सीता : हें पळय, भायर सरला न्ही, पांय मातर मेकळे कन्न येतां. हेमचे कडें उलयतां उलयतां वेळ जालो, आनीक काम कांय ना न्ही.

राम : (स्वगत) काम कांय ना खंय. काम केल्यार कितलीं तरी आसात, हेका हेडूंक जाय न्ही गांवभर?(उगड) हय हय कांय काम नात. आनी आसल्यार हांव करतांच न्ही.

सीता : हय हय करूंकच जाय. घरांत काम कन्न तर खंय करतल तर? (कानांत वचून सांगता) हांवें सांगिल्लें याद उरूं. ह्या कोंब्याक फुकट च्या दिनाका. नातर हें भूत येवचें बंद जायना.

शाणू : कितें गे व्होनये, तेगेल कानांत कितें फुतफुतता?

सीता : (हांसत) कांय ना, काय ना, अशेंय आमगेलें सेक्रेड.

राम : (बोडार हात मान्न) अगो बाये सेक्रेड न्ही, सिक्रेट गो.

सीता : हां हां तें मातर समजून व्हरात न्ही.

राम : अगो ते तुवें सांगील काम हांव करना हां. ओगीत वायटपण नाका गो.

सीता : हयी, तर बरें आसा हांवत करतां तें काम.

शाणू : कितें जाला गे व्होनये? कसलें काम? तो कित्या ना म्हणटा, आनी कितें वायटपण जातलें म्हणटा. म्हाका कांय कळना, तुमी दोगूय कित उलयतात ते.

सीता : (रामाक) तुमकां सांगूक जायना न्ही, तर हांव सांगतां भावोजी, हांव जरा स्पश्ट सांगतां, राग धन्नाकात हां.

शाणू : ना व्होनये हांव राग धन्ना गे. हांवे तुगेले जावं रामाल्या कसल्या गजालींचो राग धल्ला केन्ना?

सीता : हें पळया भावोजी आयच्यान म्हळयार ह्या घडेपसून तुमकां आमगेर च्या पितल जाल्यार किते ना किते काम करचे पडतले कळ्ले? हेज मुखार अशी काम कन्न नासतना तुमकां च्या मेळची ना.

शाणू : म्हणल्यार गे व्होनये? म्हाका कळ्ळें ना, तुमी कित सांगलां तें.

सीता : कांय ना, सरळ आसा तें. एक कप च्या पितल जाल्यार पयलीं एक माप तांदूळ विचून दिऊं जाय. दोन कप जाय तर दोन मापां तांदूळ विंचूं जाय. जशें काम केल्यार दाम तशें आमगेर काम केल्यार तुमकां च्या. आतां तरी कळ्ळें भावोजी?

शाणू : हें आनीक कित तुमगेलें नवीन व्हेनये? हांव म्हागेल्या दोस्ताल्या घरा न्ही भावाल घरा येतां. राम म्हागेल व्होड भाव, आनी त्या नात्यान हांव देर जाल ना आनी आमी चड्डे दोस्त मगे व्होनये.

सीता : चड्डे दोस्त उरूं नातर काश्टे दोस्त उरूं. देर उरूं नातर भायेस उरूं, सगळ्यांक न्याय सारको.

शाणू : (हांसत) व्होनये, व्होनये हें तुमगेल नाका जाल्लों हां.

सीता : नाका जाल्लें, ह्या असल्या कामा सुरवात खुद्द तुमगेरच्यानच जाल आनी म्हाका सांगता तुमगेल नाका जाल्ले म्हण.

शाणू : आमगेरच्यान?

सीता : हय, हय, तुमगेरच्यानच. म्हाका सांग, दर शेनवारा दिसा संघा मिटीं कोणागेर उरता?

शाणू : (हड्डें मुखार काडन्न) हें आनीक कितें व्होनये, तें आमी सांगूक जाय? सगूण आमगेले अध्यक्ष न्ही मागीर संघा मिटिंग आमगेरच जात न्ही?

सीता : हय तें म्हाक खबर आसा, पूण ह्या लोकां खबर ना न्ही? सगूण एव सोडल्यार तुमगेर कितलीं बायलां जमतात?

शाणू : (बोटा मेजत) उरतल गे व्होनये णव धा?

सीता : फक्त णव धा, हांव सांगतां तुमकां, सोडन्न हांव वट्ट चौवदा बायल आसात.

शाणू : हय व्होनये, तुमी येयनात न्ही? म्हण सगूण बेजारताले गे.

सीता : भावोजी, नाका रे बाबा तो संघ. पुरो जाल म्हाका, रीण काडचे चार आणे, भरचे बारा आणे व्याज तर मारोते शेंपडे म्हणकी वाडत वता.

शाणू : हय गे व्होनये, तूं हें मात बरोबर उलयली. बायलांक स्वताचो धंदो करूक म्हण लोन दिलार हीं बायलां टिवी, फ्रीज आनी भांगर भिंगर करतात. मागर व्याज वाडलो की संघा नांवान फुगडी.

सीता : ते मरूं, तेमी कितेंय करूं, दर शेनवारा ह्या संघा नांवान सगुणें कितें करामत करता तें हेमकां सगळ्यांक सांग.

शाणू : तुमगेल बायलांले म्हाका कित खबर गे व्होनये?

सीता : (आवाज व्होड कन्न) भावोजी म्हाका कित खबर म्हण ओगीत हात फाफुडनाकात, आनी कानार हात घेयनाकात.

शाणू : ना गे व्होनये, खरेंच म्हाका देवतेच्यान खबर ना.

सीता : गप्प राव. देवते शप्पथ घेवन म्हाक खबर म्हण बासून उदा कन्नाका कळ्ळें? खबर ना म्हणटा तर हांव सांगतां (लोकांक) तुमी बी

आयकयात. सुगुणे म्हणलार हेगेल बायल आमगेल्या वाड्या वयल्या संघाची अध्यक्षा. दर शेनवारा हेमगेर मिटींग, आनी ती सुरू जावचे पयलीं हें सगुणें त्या मिटिंगाक येयील्या प्रत्येक बायलो कडल्यान कित ना कितें काम कन्न घेता : कोणा आंगण झाडूं लायता, कोणाक तांदूळ इंचूं लायता, कोणाक गोठ्यांतलें शेण काडूं लायता, सांगूं गेल्यार खूब आसा. बेजारतले तुमी. हीं कामां करू लायता काय ना काय सगुणा तुगेलें. आता जबाब दिया भावोजी हेमकां.

शाणू : (स्वगत) पळय बरी शाणी आसा ही बायल. कितली बारीक नजर पळय ह्ये बायलेली. म्हण म्हणटात तें ओगी न्ही, रान्नींत एक खोड आनी घरांत एक बोड उरुं जाय म्हण.

सीता : भावोजी, आतां कितें गुणगूण करतात? काय हांवें सांगिल्लें आयकून तुमगेली वाचा बसली? काय तोंडार मौरी पडली?

शाणू : ते...... ते..... तेजे कित आस व्होनये.

सीता : तुमी आनीक कांय सांगनाकात भावोजी, तुमकां कांय खबर ना न्ही. आनी येयिल्ल्या चौवदा बायलांक च्या मात तुमीच कन्न दितात न्ही भावोजी.

शाणू : तें...... तें..... त.. कांय ना व्होनये.

सीता : आता त..... त.... प..... प... कित करतात. आयच्यान आमगेर च्या पितल जाल्यार कितें तरी काम करूंक जाय भावोजी. नातर च्या ना.

शाणू : बरें, जालें गे व्होनये, तुमी म्हणटा तशें आयकोचें पडलें न्ही, आतां हाड रामा करतां तुगेलीं कामां (ताट हातांत घेता).

सीता : (स्वगत) आतां कशी गाडी लायनीर येयली पळय. ह्या सोंगाली बायल हें काम दर शेनवारा करता. आता हांव दर दिसा हेजे कडल्यान कित ना कित काम कन्न घेतले. (उगड) बरें भावोजी बसात तुमी तुमगेल दोस्तां कडे उलयते, आनी काम करते. हांव जरा भायर वचून येतां. (वता)

शाणू : अरे रामा, व्होनयेक कित जालें रे ? कोणें अळक बी दिलना मरे ?

राम : अळक आनी पळक. आतां आनीक थोडे दिसांनी हांवत म्हागेली विसरतलों वळख.

शाणू : (ताट दवरत) हांव तांदूळ बी काय विंचना हां

राम : तशे जाल्यार तुका च्या ना. ती महामाया त्या तयटे माडा कडल्यान बी परत येऊं आसा. आनी समज ते पावले तर आनीक आनीक माणसुकी ना. म्हागेल सीता आतां पयले म्हणकी ना. पयलींत म्हाका इतले व्होऽऽड कामां यादी दिवन गेला. आपूण येतां म्हणल्यार सगळे जाऊं जाय म्हणलां. आनी तीं सगळी कामां जर जाल ना तर तें म्हाका उपाशी घालूक बी फाटीं पळोवचें ना.

शाणू : (हांसत) हे, कित भिता रे बायलेक?

राम : हयी हांव भितां, आनी तूं? त्या सगुण्या मुखार मोनो जाता मरे? हांव तरी बायलेक चार गोश्टी उलट सांगतां. तूं भोंक्यां शेपंडी घालन गप्प रावता मरे!

शाणू : आरे बाबा हळू उलय. हे लोक आयकतात पळय. खंयी आमगेल्ये जगदंबेक हेमी सांगल्यार आनीक माणसुकी ना. हां दी ते तांदूळ (परत ताट घेता).

राम : ह्या बायलां कडेन कशें दीस काडचे म्हण कळना न्ही शाणू? आमी म्हण आतां पर्यंत दीस काडन्न आसात.

शाणू : हय शंबरांतलें एक उलयलो तूं.

राम : आरे तें कित करता, पटपट हात मार. आनी पटपट हात मार म्हणलां म्हण फातर बी तशेच दवरशी. पेजे कुंयांत फातर आनी मेळ्ळ्यार आनीक माणसुकी ना. पयर निसांत इल्लें मीठ जास्ती पडलें. घे पुराय म्हागेल खानदाना नांव मिठा इतलें काटूक कन्न उडयलें.

शाणू : आब्बाऽऽऽ जाल रे विचूंन. आतां च्या हाडुंक हरकत ना. घरा कडली पचकी च्या पिवन बेजार येयला.

राम : बरें, कशी जाता तशी च्या कन्न हाडटां. ते तांदूळ दी पळया. आदनाक घालूं जाय. तूं बस आं, हांव येतां. (राम भितर वयता).

पड्डो



गार्डन सीन

(प्रवेश 2)

सुमन : (वाट पळयत उबें आसा, वय 19 ते 20) खंय गेलो काय हो, कितलो वेळ जालो, हांव वाट पळयतें आसा. आनी हो अजुनी पावना. आनी हांवें मातर लेट केल्यार पुरो, पुराय गार्डन माथ्यार घेता. म्हाका बेग्गीं पाव म्हणटा आनी आपूण तडव कन्न येता. घरांतल्यान बेग्गीं भायर सरल्यार आई सवता, सक्क सकाळीं खंय वयता काय म्हण, आनी लेट कन्न घर गेल्यार खंय मिरोवंक गेल्लो. इतलो वेळ काय म्हण, परत घरांत आनीक गाळी खावूंक जाय. हेमकां दादल्यांक हीं बंधनां नात, तरी हेका केन्नाय पळयल्यार लेट, खंय पावलो काय हो?

दिनेश : (प्रवेश करतां वय, 25 ते 27, फाटल्यान धरता) हाय सुमा राणी. सॉरी, सॉरी डार्लींग, म्हाका लेट जालो. तेजें कित जालें खबर आसा......

सुमन : (मिठी सोडयत, रागान) हय खबर आसा. गाडी पंक्चर, ट्रॅफीक जाम, गाडी सुरू जायना जाली, घरा कडे बाब आशिल्लो, आनी भायर पडटना काम सांगलें, तें करूंक गेल्लों, काय आनीक कितें कारणां आसात? सांग.

दिनेश : अगो बाये, म्हाका माफ कर. कितलें म्हण तूं रागार जातले? (कान धरत) हें पळय दोनी कान धरन माफी मागतां, दिंबी मार म्हणटा? (दिंबी मारता, हात हातांत घेवन) रियली आय ॲम सॉरी, माय स्वीट हार्ट. कीत करूं, म्हाका इल्लो वेळ जालो.

सुमन : (रागान) इल्लो, इल्लो. न्ही पुराय एक तास लेट जाला, खबर आसा तुका? हांव हांगा झक मारीत आसा. आनी हांगा आशिल्ले लोक बायल चलयो केन्ना पळयिले नाशिल्ले भशेन म्हाका पळयत आसात. तुका कितें सांगूंक? आनी हांव मात लेट जाल्यार पुराय गार्डन माथ्यार घेता.

दिनेश : अगो बाये, म्हागेल्या काळजाच्या तुकड्याक मेळूंक हांव आनीक लेट करतां? हांव तुका हाडच्याक गेल्लो तुगेल परा. तुगेल बर्थ डे न्ही! तुका बर्थ डे गिफ्ट हाडलां.

सुमन : गिफ्ट? दाखय न्ह दाखय न्ही!

दिनेश : (खिशांत हात घालता) पयलीं दोळे धांप, मागीर दाखयतां. आनी हां दोळे उगड म्हणले शिवाय दोळे उगडूं जायनात

सुमन : बरें बाबा एज यू वीश.

दिनेश : (चैन गळ्यांत घालीत) हां आतां दोळे उगड.

सुमन : (गळ्यांत हात घालन) आं... चैन! ही आनीक म्हाका कित्याक?

दिनेश : अगो प्रेमान दिल्ली वस्तू कित्याक अशें म्हणिनात हां! हांवें तुका आवडीन हें बर्थ डे गिफ्ट हाडलां, तुका आवडले ना?

सुमन : ना रे राजा! आवडलां, खूब आवडलां. पूण म्हाका भंय दिसता, आइ उलयतली म्हण. (चैन काडूंक गळ्यांत हात घालता)

दिनेश : अगो काड नाका, कित्याक काडटा? ती आमगेल्या प्रेमाची निशाणी.

सुमन : ती गळ्यांत पळयल्यार आई घालतली गाळीं राशी.

दिनेश : सरपळी काडल्यार आमगेल्या प्रेमाक कितें किंमत उरली?

सुमन : तशें न्ही रे राजा, फकत भांगर, पयसो म्हणल्यार प्रेम तर?

दिनेश : (वेंगेंत घेवन) तशें न्ही गो शाण्या, भांगर, पयशे मनश्याक जायीच पूण म्हागेल खुशेन तुका गिफ्ट केलां न्ही, तुका ती आवडल ना तर (निराश जाता).

सुमन : नाका रे असो नर्वस जायनाका. तुका राग येयलो. पूण ही सरपळी आईन पळयल्यार हांव कितें सांगूं? तशें म्हण ती हांव काडूं पळयतालें.

दिनेश : (हांसत) इतलेंच मुगो. तिका सांग गडा वयल्या भटाल्या दुकानांतल्यान हाडला म्हण नकली भांगराची. काम जालें, आनी तूं सदां घालनाका. हां म्हाका मेळूंक येयील तेन्ना मात घाल. तिका बी संशय नाका. कारण त्या नकली भांगरा कस म्हयने गॅरंटी न्ही.

सुमन : (लाडान) हूं बरो आसा तूं म्हाका आईकडेन खोटें उलय म्हण सांगता?

दिनेश : मेरे जाने जीगर, प्यार में सब कुछ जायज होता है।

देनेश : हांवे सांगील तशें सांग गो आईक.

सुमन : हय रे आयडिया बरी आसा. हें तकलेंत येयलें ना मरे ?

देनेश : अगो रागान तुगेल बोड तापील न्ही, म्हण तुका तें तकलेंत येयलें ना.

सुमन : (लजत) आसूं तें आता. म्हाका सांग, कितें खबर गोंयची, आमी आठ दिसां एक पटी मेळटात ह्या बागांत. थंय बिचार म्हण वयची माणसुकी आसा? ह्या लोकांन आनीक पळयल्यार सरळ घरा वचून सांगतले. म्हाका तुगेल्या बाबालो भंय दिसता रे.

दिनेश : गोंयची आनीक खबर कितें? गोंय आसा म्हण आमी आसात, आनी आमकां गोंय म्हणल्यार मिनी दुबय न्ही! थंयच आमगेली रोजी रोटी चलता न्ही, थोडो त्रास जाता, पूण करया कितें? आलिया भोगासी असावे सादर.

सुमन : खरे म्हाका तुगेल बाबालो खूब भंय दिसता रे.

दिनेश : अगो इतले कित्याक भिता? आनी मुकार फाल्यां लग्न जातकीच कशें कन्न रावतलें तूं आमगेल घरांत?

सुमन : ना बाबा ना, लग्न जाल की हांव गोंयां तुज बरा रावतलें. ना बाबा त्या वागाले घोलींत रावचें ना.

दिनेश : (रागान) कितें म्हागेल बाबाक तूं वाग म्हणटा!

सुमन : (कान धरत) ना, ना, चूक जाली.

दिनेश : (हांसत) ना, ना, हांवें तुगेली मस्करी केली. हय गो, तो मातर रागिश्ट आसा, तरी मनान प्रेमळ हां ! आनी म्हणटात न्ही, स्वभावाक वखद ना म्हण.

सुमन : (गंभीर जावन) मागीर तो आमकां लग्न जाऊं दितलो मरे?

दिनेश : बरे भशेन, जाऊं दिलें ना तर आमी पळन वचून लग्न जावचें.

सुमन : ना, नाका म्हाका पळन वचून लग्न जावचें ना. अरे देवाल्या आशिर्वादा बरा म्हाका घरांतल्या जाणट्यांले बी आशिर्वाद जाय.

दिनेश : बरें बाये, तुगेल्या मना सारकें जाल्यार पुरो.

सुमन : अरे टायम पळय कितलो जालो तो. खूब वेळ जालो न्ही, आईन बेग्गीं घर यो म्हणला. आनी लेट कन्न गेल्यार गवजी घालतली.

दिनेश : इतले बेग्गी वयता ?

सुमन : मागीर तूं लेट कन्न कित्या येयिलो ? बेग्गीं येयल्यार मातर जास्त वेळ राऊं मेळचे नाशिल्लें ? आसूं, तरी मुकाल्ले आयतारा बेग्गीं यो हां.

दिनेश : सॉरी डार्लींग, तुका सांगूक विसरलों पळय, मुकाल्ले आयतारा म्हाका मातर काम आसा. तशें म्हण म्हाका येऊं मेळचें ना. तुका हांव फ्री आशिल्ल तेन्ना कॉल करता गो.

सुमन : कितें ? पयलीं आठ दीस हांव कशे कन्न वाट पळयता तें म्हाका खबर आसा, तेतूंत आनीक आठ दीस म्हणलार म्हाका आठ वर्सां तीं.

दिनेश : अगो तेतूंत कितें आसा. म्हागेल फोटो आस मुगो तुज कडे, याद येयल्यार पळयतें राव.

सुमन : हांव आनीक कित करतले बडें ?

दिनेश : कित्याक अशें नर्वस जाता तूं, हांस पळया. तूं नर्वस जावन गेल्यार पुराय आठ पंदरा दीस बेजान्न वयतलो.

सुमन : (हांसत) ना रे, मातर वायट दिसता न्ही, पूण.... पूण...

दिनेश : पूण कितें ?

सुमन : पयली आमी गरीब, आनी तुमी श्रीमंत. कशें कन्न घडोन येतलें आमगेलें ? तेतूंन आनीक तुगेल बापूय कडक. तुका बरी वरदक्षिणा घेतले शिवाय तो लग्न करचो ना. आनी मागेल बापूय पॅन्शनदार, भाव तो आतांच गोंयां कामाक लागला. कितें करचें कळना म्हाका.

दिनेश : तूं ओग्गी टॅन्शन घेनाका, देवाचेर विश्वास दवर, आनी मागेल प्रेमार तुका विश्वास आसा मुगो ?

सुमन : हय रे, देवाचेर आसा, आनी देवा पेक्षां तुगेल प्रेमाचेर इल्लो जास्त विश्वास आसा.

दिनेश : तरी वेळ येत तेन्ना बाबाक समजायतां. तूं बेजार कन्न घे नाका. तो समजलो बरो आसा, ना तर पळून वयचे शिवाय गत्यंतर ना आमकां.

सुमन : ना, बाबा म्हाका पळन्ना वचून लग्न जावचें ना.

दिनेश : चुकलें बरें बाये, तुगेल मना सारके जाऊं.

सुमन : चल आतां हांव वयता.

दिनेश : अगो हांव तुका पावयतां बायकार.

सुमन : (आंग काडीत) ना रे बाबा! नाका.

दिनेश : किते गों किते जालें? कित्या अशें आंग काडलें?

सुमन : तुका सांगूंक याद ना, गेल्ले आयतार आमी बायकार वयतालें तेन्ना, आईल्या मामाल चलयेल्या मावसभयणील्या फागूर नणंदेल्या घोवान आमकां पळयलें, आनी घरा वचून आईक सांगलें.

दिनेश : हयी! मागीर आईक कितें सांगलें तुवें?

सुमन : हांवें आईक तें हांव न्हीत म्हण बासून उदा केलें.

दिनेश : बरें हुशार मगो तूं, आईक बरी धोत्र्या फुलां माळयलीं.

सुमन : आनीक कितें करतलें, वारो येत तशें सूप धरूं जाय न्ही?

दिनेश : चल या आमी, मागीर हांव फोन करतां तुका.

सुमन : बरें हां काळजी घे. म्हागेल हुसको करते राव नाका.

दिनेश : बरे बाऽऽय स्वीट हार्ट, आय लव यू.

सुमन : आय लव यू टू.

(दोगी जाण वतात, पड्डो पडटा)



रमाकांत सावकाराले घर

(प्रवेश ३)

(रमाकांत सावकारालें घर, तो श्रीमंत. आनी खुर्चेर बसला. आनी कोणा तरी वाट पळते आसा. घरांत सगळी श्रीमंती नदरेक येता, आनी पांडू प्रवेश करता).

पांडू : नमस्कार, सावकारानु, आज येऊं मातर लेट जालो, म्हण माफ करात, तेजें कित जालें काय म्हणलार...

रमाकांत : तेजें कित जाल काय म्हणलार .... तें तुगेलें सदींचें पुराण जालां. आज म्हाका काय कारणां सांग नाका, कारण तुगेलीं सगळीं कारणां म्हाका पाठ जालांत, केन्ना रस्त्यार तुका पालखी मेळटा, केन्ना कोणालें तुका दिबण मेळता, केन्ना (खांदार हात दाखयत) कोणाली ही यात्रा मेळटा, नातर वाड्यार कोण जालो नातर कोण गेलो, नातर चुलत्यालो साडवालो, फागूर जांवयालो जांवय तरी तुका आमगेर येतना वाटेर मेळटा.

पांडू : हें पळयात हें सगळें हांव मुद्‌दाम करतां? आनी म्हाका सांगा, हांवें केन्ना तरी रजा घेतला? हां एक जिवाक बरें ना जालार, खंयी परब, जात्रा, बी आसल्यार हांव रजा घेतां.

रमाकांत : हय, हय म्हयन्याक कितल्यो परबो आनी जात्रा जातात गांवांत म्हाका खबर आसा हां! माजराले सटयेक आनी कुकडाल्या बारशाक सुद्धां तुका रजा दिऊंक जाय न्ही.

पांडू : हय सावकार, एकटो जीव सदाशीव. आनी कित करतलो, खंय तरी टायमपास करूं जाय न्ही?

रमाकांत : हयी म्हणलार म्हाज कडे बी कामाक टायमपास करूं येता म्हण जाल तर. मागीर तुका पगार आनीक कित्या दिऊंक जाय?

पांडू : आंऽऽ नाका, नाका सावकार, अशें आनीक तुमी करनाकात. हांव चुकलों. शांतम् पापम्, शांतम् पापम्, चूक जाली सावकारा. हे चुकीक

चपलान मारात, शेणान मारात, मातयेन मारात, पूण मातर पगार बंद करनाकात सावकार हांव उपाशीं पडटलों.

माकांत : आतां कसो जाग्यार येयलो? खंयकी मारल्यार दांत झडतात. खंय तशी खबर जाला तुगेली. तूं इतलीं वर्सां जाली म्हागेलीं नोकरी करता, आनी तुका हांव पगार दिनासतना रावतलो.

ांडू : (श्वास सोडन) आब्बा! आतां मात जिवांत जीव येयलो. म्हाका पळयात सावकार तुमगेल त्या म्हणण्यान मागेली एक वयर आनी एक सकल गेली पळया. सावकार हांव इल्लें उदा पिता हां. (पिशवेंतल्यान बाटली काडन्न उदा पिता).

रमाकांत : मागीर हांवें सांगील काम केलें तुवें?

ांडू : सावकार, तुमी काम सांगचें आनी हांवें करिनासचें अशें केन्ना तरी जालां? हनुमंताक आज्ञा केल्यार पुरो, काम जालें म्हण समजचें.

रमाकांत : मागीर सांग हांवें सांगिल्ल्या कामाचें खंय पावलां तें?

पांडू : हय सावकार. तुमी बाळाक चली पळय म्हण सांगिल न्हय? हांवें ते काम केलां. चलीकारागेर वचून कितल्यो चलयो जमयला पळय. हे पळयात फोटो सावकारांनु. (फोटो पिशवेंतल्यान काडून हातांत दिता) हां सावकार पयली तुमी पास करा, मागीर आमी बाळा दाखोवया.

रमाकांत : (आश्चर्यान) आंऽऽ. आमगेल गांवांत आनीक इतल्यो सुंदर चलयो केन्नाच्यान येवन राऊं लागल्यो. ही तर डिट्टो करीना, ही कातरीना, ही करिश्मा आनी ही प्रियांका.

पांडू : (स्वगत) अरे देवा कित तरी गफलत जाल उरतली. (पिशवेंत परत सोदता).

रमाकांत : (लोकां दाखयत) हांव तुमकां खोटें उलयतां अशें दिसत तर पळयात हे फोटो. (तेन्नात पांडू हातींतल्यान फोटो काडून घेता.)

पांडू : तुमी म्हण न्ही सावकार. तेमकां म्हण आनीक कित्याक दाखयता (हातांत दुसरे फोटो दीत) हे पळयात ते त्या चलेयांले फोटो.

रमाकांत : तर त्या नटयांले फोटो म्हाक कित्या दाकयत तर?

पांडू : चूक जाली सावकार, तेमकां आनीक दाखयनाक पळया हे फोटो.

रमाकांत : म्हाक एक सांग रे, ह्या नटयांले फोटो तुगेल पिशवेंत कशे?

पांडू : ना सावकार तेमी न्ही, तेमी न्ही.... (लजता)

रमाकांत : (आवाज चडोवन) कित तेमी तेमी करता? आनी लजता कित नवीन व्हंकल अशी, समा सांगूं जायना.

पांडू : तेमी नी सावकार म्हाक खूब आवडतात म्हण तेमगेल फोटो घेवन फिरतां मातर मनाक सूऽऽऽ जात सावकार.

रमाकांत : हो मोरू बाबा हो. अरे तुगेल्या चले म्हणकी तेमी आनी तेमगेल फोटो घेवन तूं भोंवता? कित रे तुका म्हातारचळ लागलां काय कित रे?

पांडू : ना सावकार कित करूं? पयलीं लग्न जाल ना आनी आत लग्न जावच्य म्हणल्यार कोण चली दिनात. सावकार तुमगेल कोणी वळखीचें उरलार हांव म्हणटालो बाळा पयलीं म्हागेल लग्न कन्न सोडा न्ही.

रमाकांत : (तापून) हरामखोरा, अरे तूं कोणा कडे उलयता खबर आसा मरे? म्हाक तूं पयलीं चली पळय म्हणटा तुका? कित हिम्मत तर तुका. आयच्यान आमगेल घरांतल्यान जागो खाली कर. चल म्हागेल घरांतल्यान तुका कायमची रजा दितां हां, कितले जातात तुगेल पयशे पगाराचे? (खिशांत हात घालता) आत्त हिशोब करता तुगेलो.

पांडू : (पांय धरता) नाक सावकार नाक, म्हाका कामा वयल्यान काडू नाकात. चूक जाली म्हागेली. वयनी उरलार माक कामा वयल्यान काडची नाशिल्ली. सावकार हें पळय, हांव पोले फोडन्न घेतां. चूक जाली सावकार, आनी अत्तपर अशी चूक कन्ना.

रमाकांत : पुरो आतां तुगेलें नाटक.

पांडू : सावकार आत तरी ते फोटो पळया न्ही. (रमाकांत फोटो पळयता) पळया सावकार ही हणकोण जुगा वयली, ही हळगे जुगा वयली, ही खारगे जुगा वयली, आनी ही आंबे जुगा वयली, आनी ही ही पळया ही बावटे जुगा वयली.

रमाकांत : अरे कित हे सगळे जुगच घेवन येयल मरे, काजुबाग, कोडीबाग, दादनबाग, हळ्ळेबाग, दांडेबाग, हांगा पावल ना तू?

पांडू : हे पयलीं फोटो पळयात, पास करात. हे जमले तर बरें आसा ना तर मागीर सगळी बागा आसात न्ही. हांव आसतना तुमी कित्या भितात सावकार?

रमाकांत : (निराश जावन) हांव पास करन रे, पूण बाळान पास करूं जाय न्ही?

पांडू : सावकार, आज आयतार न्ही? बाळ तर घरा आसा, आमी हे दाखोवन सोडया फोटो. तो रात्री गोंयच्यान येयल मूं?

रमाकांत : येयला, रातीं रेल्वे बरीच लेट कन्न येयली खंय. आनी घरा पावूंक आनीक लेट. सकाळीं आनीक हांव तेका उठोवंक गेलों ना. न्हिदूं म्हण मातर. पयलीं थोडो त्रास काडला तेणें सकाळीं चारां उठून जेवन रांदून सची रेल्वे धरची कसरत करूं जाय आशिल्ली. परत काळखांत घरा. काळखांत सुरू जाल्लो दीस काळखांत रात्रीन सरताल. फक्त आयतार सोडलार तेका कारवारचो दीस नशिबां नाशिल्लो. आतां मातर ह्या वर्सभरा कडे गोंयांतच राविल्ल्यान हो दगदग मातर चुकलो. तरी हो पोर म्हाक पयस जाल न्ही? ह्या येदे व्होड घरांत म्हारू अशे तूं आनी हांव. पुराय आमगेल गांवांत प्रत्येक घरांत हीच गती. आसूं कित कऱ्या, नशीब आमगेलें!

पांडू : सावकार, तुमी असे निराश जायनाकात. तो खूश आसा न्ही, तितलें पुरो. आमी आत सगळे करचें तें आमगेल पोराक न्ही. आमगेल कित आसा आतां, दस सरले पांच रवले.

रमाकांत : हय तूं म्हणटा तें सारकें. पूण आवय नासतना तेका हांवें वाडयलो, आनी आत तो दोळ्यां मुखार उरना म्हण जिवाक खूब त्रास जातात रे म्हाका.

दिनेश : (भितरल्यान प्रवेश करता) बाबा, म्हाक मातर उठूंक लेट जालो. तुमी तरी म्हाक उठोवचे न्ही? खूब दिसान बरी न्हीद पडली. नातर सगळी धांवपळ जाता.

रमाकांत : हय तुका हांव उठोवंक गेल्लों रे, पूण तूं सोंशेत तें पळोवन उठोवंक गेल ना. आनी तेतूंत तूं रातीं लेट येयील न्ही रे?

दिनेश : अरे पांडू काका कसो आस तूं? साप्प जाल मरे.

पांडू : हांव बरो आसां पुता, आत आमगेल वय जालां, आत ह्या वया बरा चलचें आमी. बाळा तूं इतले त्रास काडटा ते हांगा खंयी काम पळोवचें न्ही, नातर बाबालो धंदो तरी सांबाळून रावचे रे.

दिनेश : (रागान) कितें? हांगा आनी खंयी काम पळय म्हणटा, ह्या गांवांत कितें कांटे आनी खुंटे इंच म्हणटा? ते इंचून सुद्धां फायदो ना. कित आस ह्या गांवांत? फक्त भरलात ते रिटार्यड जाणटेले, आनी थोडीं पोरां, तीं बी ल्हान आस म्हण. मागीर वयचे पोटा फाटल्यान गोंयां नातर मुंबय. आनी तेतूंत हो बाबालो लोका लुटचो धंदो.

पांडू : तशे न्ही धाकले सावकार.

दिनेश : तूं तरफदारी घे नाका बाबाली. पांच दिवचे आनी पंदरा घेवचे, होत तुमगेलो धंदो.

पांडू : धाकले सावकार तेजे कित आस न्ही,तळाक लागील तूप काडतल जालार आमी हातीन येयल ना जालार बोट घालू जाय न्ही?

दिनेश : बोट? तुमी पुराय हात घुसयतात. जल्ल्यांक खंय मिशी घुसोवंक मेळ्ळ्यार पुरो, ते पुराय आंग घुसयतात. तशी तुमगेली गत, त्या जल्ल्या वरी.

रमाकांत : (रागान) तोंड गप्प कर पयलीं तुगेलें. म्हाक शाणेपण नाक तुगेलीं.

दिनेश : बाबा, हांव कित अडेचें उलयलां? तुमी जे कित करतात, आनी केला तें फक्त हांवें सांगला. आनी बाबा, खरे उलोवंक कित बंदी आस तर? हे तुमगेल सगळे प्रताप पळोवन आई हें जग सोडन गेली. तुमकां ती पर्वा ना. सोड.

पांडू : धाकले सावकार, कित उलयता तुमी? तो तुमगेल बापूय म्हण तरी मातर भान दवरा.

दिनेश : काका किनले पटीं सांगलें तुमकां, म्हाक सावकार म्हण नाकात म्हण. आत तुमकां प्रत्येक वेळा वेगळें सांगचें पडटा?

पांडू : आसूं तें परत परत तोंडांत येता. पोरा बाबा कडे उलयतना मातर भान दवर.

दिनेश : भान आस म्हण इतलें उलयतां, आनी उलयते आसां. म्हाक दिसता तुमी आमगेल बापूय/पुता मदीं उलयना जाल्लें बरे. मागीर म्हागेल तोंडांतल्यान काय वायट शब्द तुमचे बद्दल भायर येयलार हांव जबाबदार ना. काका, ह्या घरांत तुमगेल कित काम आसा तें पळयात तुमी.

रमाकांत : अरे तो तुगेल बऱ्या साठींच सांगता न्ही. आनी तुगेल बऱ्या साठीं सगळे करते आसा. तेणें तुका चली दाखोवंक हाडला.

दिनेश : चली? (हांगा थंय सोदीत) आमी तर हांगा फक्त तीग जण आसात. थंय (बोट दाखयत) माटवांत चलीयो आसात खऱ्यो पूण त्यो खंय ना खंय येंगेज जाल्यो उरतल्यो न्ही काका?

पांडू : अरे बाबा, कित मस्करी करता? अरे चली दाखोवंक म्हणलार हे थोडे फोटो हाडिल्ले, तुका दाखोवंक (रमाकांताल्या हातांतले फोटो घेवन दिनेशाक दिता).

दिनेश : काका, अरे व्वा एका परस एक चलीयो सुंदर आसात न्ही?

पांडू : (स्वगत) हें होडार पडलें मूं? (उगड) अरे तेतूंतली एक चली पास कर. तुका थोऽऽड्यो चलयो पळोवन जाल्यो? चलेगेर वचून वचून म्हागेल चप्पल सुद्धां झरली. तरी खंयी देवळा गेल्ल कडे नवीन मेळटात म्हण सांग. तरी ह्या पटीं मन होड कन्न चली पसंत कर बाबा.

दिनेश : काका, काका हेमी म्हणलार होमगेल आवो बापूय, कितले दिऊं तयार आसात खंय?

पांडू : हय मरे, पाड पडूं रे ते यादीक. हे ह्या दिसान अशेत जाता. सांगूं विसरलो बाबा, त्या त्या प्रत्येक फोटवा फाटल्यान तोळे आनी आंकडे बरयला पळय. बरयल म्हणलार तेमगेल बाप्पान सांगला हां.

दिनेश : हयी? काका आतांचे चलयेल बापूय म्हण बरे हुशार आसात न्ही? (एक फोटो फाटी कन्न पळयत) हें कोण. सरीता, 50 तोळे, पन्नास हजार, हे सुनीता 60 तोळे तीस हजार, हे रोहिणी 75 तोळे, आनी 50

हजार. (रागान फोटो तिपायेचेर उडयत) बाबा, काका हे कित चलयला तुमी म्हाक कित लग्ना बाजारांत विकूं काडला?

रमाकांत : बाळा ही आमगेली रीत. आनी तशें आमी बी करूं जाय न्ही.

दिनेश : तुमगेल रीत भात घाला होन्न रान्नींत. चलयेगेरच्या लोकाली मात तरी दया करा. बाबा तुका एक चली आसलार कळाटाले.

पांडू : बाळा हांव तुगेल्या बऱ्या साठींच करत न्ही?

दिनेश : (तापत) काका तुमी मातर गप्प रावतले? आमगेल बाप्पा–पुता मदीं तुमी कित्या पडटा? पडील दात कसो मदीं मदीं पच्च करता. म्हाक दिसता तुमी आमगेलीं ही उलोवणीं जात म्हणलार भायर व्हरांड्यांत वचून बसात.

पांडू : धाकले सावकार, तुमी म्हागेलो अपमान करतात.

दिनेश : हांव अपमान करतां, तुमकां पयलींच सांगलां न्ही, तुमी आमगेल मदीं पडनाकात म्हण.

पांडू : हांव जरी ह्या घरा नोकर जालो, तरी म्हाक मान, अभिमान आसा. आनी व्हडल्या सावकारान सांगले शिवाय हांव भायर वचना.

दिनेश : बाबा तुमी गप्प कित्याक? तुमी तरी सांगा न्ही, नातर हांव वयतां भायर.

रमाकांत : बाळा, पयलीं काकाली क्षमा माग. तो जरी ह्या घरांतलो नोकर उरलो तरी तो आमकां घरांतल्या वरीच आसा. पयलीं माफी माग.

दिनेश : सॉरी काका, म्हागेल चूक जाली, म्हाका माफ कर.

रमाकांत : हां आत तूं भायर वचूंक हरकत ना, आनी आमी दोगी जाण उलयता म्हणलार भायर आंगणांत खोबरी सुकोवूंक घातला तीं मातर पळय, आनी हांवें आपयले शिवाय तूं भितर येनाका कळ्ळें?

पांडू : बरें सावकार तुमी सांगील तशें (भायर वता).

रमाकांत : बाळा, अरे, हेतूंतली एक चली पास कर, बरे गडदेन तुगेल लग्न करया. पुराय कारवार गांवच्या लोकांन हें लग्न याद दवरूं जाय. आनी गोंयां

वचून कित्या ओगीच दणदणे काडटा? अरे, हो सावकारी धंदो तूंच सांबाळ, पळय सगळीं सुखां तुमगेल पांयां कडेन येतलीं. लक्ष्मी येवन दैल्लात उबी रावतली.

दिनेश : बाबा, हांवें तुमकां हजार पटीं तरी सांगले, आत आनीक परत सांगतां, म्हाक ही लूटमारी सावकारी नाका. हांव आस तो बरो आसा तुमगेल हे असले धंदे पळोवन आई सुद्धां हो संवसार सोडन्न गेली.

रमाकांत : आसूं रे तें बाळा, वयतल्याक आमी आडोवंक शकतात?

दिनेश : वयतल्याक आडोवंक शकनात, पूण ती तुमगेल पांयान म्हाक सोडन्न गेली. त्या सुब्राय नायकाली 100 एकर जमीन तूवें हडप केली आनी आईल नांवार केली हो धक्को ती सहन करूंक शकली ना. पयलीं त्या सुब्राय नायकाक कन्नड कळना, तश म्हण तुमगेल फावलें, आनी जमीन ताब्यांत घेयली.

रमाकांत : कित रे बाळा, बायलां भशेन तेत्त तेत्त झरयता? हांवेंत कित्याक गांवांत जायते लोकांन केलां, आनी तेतूंत मंत्री आनी संत्री धन्न सरकारी नोकर सुद्धां सामील आसात हां. तेमी केलार जाता, आनी हांवें केलार लोकांक नाडले अशें जालें?

दिनेश : बाबा, एकल्यान गाय मारली म्हण दुसऱ्यान वासरूं मान्न नयो खंय. म्हण हांव गांवचे लोकांक सांगते उरतां, म्हयने म्हयन्याक रिकॉर्डी उतार काडन पळया, नातर ह्या गांवचे तुमचे असले सावकार लोक केन्ना कोण कोणाली जमीन, शेतांभाटां हडप करता तें कळना, आनी केन्ना शेतकी जमीन बीन शेतकी जाता, आनी बीन शेतकी मात शेतकी जायना न्ही बाबा?

रमाकांत : अरे हे हांव सगळें कोणा खातीर करतां?

दिनेश : (ना समजून) आं... कोणा खातीर?

रमाकांत : अरे पुता, तुजे साठींच न्ही.

दिनेश : म्हाज खातीर? म्हाक नाक ही बाप कमाई. आप कमाईंत मजा आसा ती बाप कमाईंत ना. कळ्ळे बाबा?

रमाकांत : वाऽऽऽवा कित उलयता तर, आप कमाई म्हण वाऽऽ! म्हणलार इत दीस म्हागेल कुस्तार मजा मारिल्ली, शिक्षण घेतिल्लें सगळें का न्हंयेतं गेलें न्ही? तेन्ना मात म्हणल ना बाप कमाई की म्हण?

दिनेश : बाबा, चुकतात तुमी. पोर ल्हान आशिल तेन्ना तेमगेल पालन पोश करचें काम आवयबापायलें. आनी तुमी तें कर्तव्य केलें. म्हाक तु ल्हानाचो होड करूंक खंयचो पयसो वापरलो, म्हाक खबर ना. आ जेन्ना म्हाक कळ्ळें ह्या घरांत हरामाचो पयसो येता, तेन्ना हां म्हागेल स्वता पायार उबो आसां. बाबा, आज हांव इतलें कमयता व बायले पोरा सयत तुमकां बी पळोवची ऐपत आस म्हाक देवादयेन, पू म्हाका इश्टेटी वांटो नाका, आनी आशा बी ना म्हाक.

रमाकांत : मागीर ही आस्ती पास्ती कोणाक तर?

दिनेश : कोणाक? लोक खावन वचूं. म्हाक पर्वा ना. कारण दूद तें दूद आन उदा ते उदाकच शेवटीं बाबा.

रमाकांत : अरे बाबा असो हट्ट करनाका. हें सगळें तुकाच न्ही? गोंयां तूं थंय थोडे त्रास काडटा? पयलीं आनी सकाळीं कावळे उठचे पयल वयतालो आनी कावळे न्हिदले बरा घरा पावतालो. गांवांत कित जात आनी कित जायना खबर तुका उरनासली. तुगेल हाल कळटाले म्हाक म्हण तुका थंयीच राव म्हणले हांवें पूण तूं कायम थंय रावल्यार आमगेल फाटल्यान कशें पुता?

दिनेश : बाबा, हांव जरी गोंयां उरलों तरी गांवची प्रत्येक परब, देवा परब, म्हातन, जात्रा, आज पर्यंत चुकयलां हांवें? आनी हेजे मुखार बी हांव चुकोवचों ना, हांव तुमकां वचन दितां बाबा.

रमाकांत : तें सगळें खरें, पूण ही आस्ती पास्ती कित करूं तर?

दिनेश : (हांसत) बाबा, सोंप्पो उपाय आसा, ही सगळी गोरगरिबांक दान कर. नातर गरीब पोरांक शिकया, नातर थोडे तरी पोरांली गांवांत रावची नेवस्था करा. गांवांत कसलोय धंदो ना तो सुरू करा. सगळ्या ना तरी थोडे लोकांले तरी त्रास चुकतले. सकाळीं दणदणे काडचे चुकतले. बाबा, पुरो केल्लीं पापां. आतां तरी थोडें पुण्य जोडात. तुमी तशें केल्यार आईल आत्म्याक तरी थोडी शांती मेळटली.

रमाकांत : पुता, आसूं त्यो पाप पुण्याच्यो गोश्टी, ह्या फोटोंतली एक तरी चली पास कर आनी लग्न जा पुता. पळय मरे. तेमी कितलो हुंडो दिवंक तयार आसात. पळय पळय कितलें घालन्न कन्न दितात तेमी.

दिनेश : (बोडार हात मारत) अरे देवा, आत इतलें सगळें सांगलें तरी ओमत्या कळशार उदाक. राम जालो, रामायण जालें तरी हेका सिता कोण काय म्हण खबर ना. (तापून) बाबा, तुमी म्हाक कितें लग्ना बाजारांत विकूंक काडला? अशें लग्न म्हाक करचें ना.

रमाकांत : बाळा, तुक विकूं कित्याक? अरे तेमी दितात, आमी इतलेच. अरे अशी देवान धाडन्न दिल्ली लक्ष्मी नाक म्हणनाका.

दिनेश : बाबा, हांव लग्न जातोलो तें म्हाक पसंत आशिल्लो चलये बरा. म्हाका भांगरां बिंगरां कांय नाकात. जे चलयेले संस्कार, भांगरा सारके उरतले तसली चली म्हाक जाय, न्ही भांगर आनी पयसो.

रमाकांत : अरे पिश्या, म्हागेल पुता, संवसार करतल जालार भांगर आनी पयसो जायच मरे.

दिनेश : तें खरें बाबा तुमगेलें.पयसो नाक कित्याक? जिवन करतल जाल्यार पयसो जाय. आनी पयसो हो मुख्य उरता प्रत्येक मनशाक. पूण हरामा पयसो, लोकां लुटिल्लो पयसो. मना सूख शांती दिना बाबा. त्या रस्त्या वयल्या गरीब लोकांक पळया, तेमचे कडेन पयसो ना, तरी सूख आसा. तेमकां आनी रातीन पळया कशें आरामात न्हिदतात. पूण तुमकां रातीन न्हीद पडता हयी? तुमकां हुसको तुमगेल आस्ती आनी पास्ती कोण व्होरत म्हण न्ही? आनी इतलेंच न्ही, फाल्यां कोणा तोपी घालची, कितले कमोवचे? हो हुसको उरताच, म्हण न्हीद पडना. तश म्हण पदे पदे डॉक्टरा कडे कोण वचते उरता? हांव काय तूं? बाबा, म्हाक फालतू गोश्टी उलोवंक वेळ ना. तुमकां कितलेंय सांगल्यार तितलेंच.

रमाकांत : पुता, एक तरी चली पास कर मरे.

दिनेश : ना बाबा तें जावचें ना आनी म्हाक जमचें ना. हांव म्हाक पसंत आशिल्लो चलये बराच लग्न जातोलों हें सुर्यप्रकाशा इतलें सत्य आसा.

रमाकांत : तश जाल्यार म्हागेल इस्टेटींतली एक फुटकी दमडी बी तुक मेळची ना, याद दवर सांगतां तुका.

दिनेश : (बेजान्न) बाबा कितले पटीं सांगलें तुमकां म्हाक इस्टेटी आशा ना म्हण. आनी म्हाक पयलीं लेट जाता. आनी हा हांव जरा लेट कन्न घरा येतलो. म्हागेल वाट पळयते राव नाका. (भायर वयता)

रमाकांत : हो असो लायनीर येना फक्कत आवय म्हणकी जाला पोर. कसली म्हण ती आश ना. आतां कांट्यानच कांटो काडूं जाय. आनी म्हाकात कित तरी उपाय करूं जाय. (पांडूक आपयता) ये पांडू, ये पांडू, अरे यो भितर, तो गेलो. हो कित मामाल जांवय काय, आपयल शिवाय भितर येना. आनी हांव आपयतां काय म्हण वाट पळयता. अरे बाळ गेलो, यो तूं आता भितर.

पांडू : (प्रवेश करता) येयलों, येयलों सावकार, येयलों. काय ना, टायमपास. (जिबली चाबता) ना सावकार भायर सुकोवूं घातिलीं दोन खोबरीं चाबलीं. आनी धाकले सावकाराक पळयते उरलों. मार रागान फास्ट बायक मारन गेला.

रमाकांत : कांय ना, तें आतां तन्ने रगत न्ही. मातर बेग्गीं राग येता. आतां तूं कान उगडे दवन्न आयक, हांव कितें सांगतां तें. हयगय करूं जायना. तुका कितलेय दीस लागुं. तुवें हें काम करूंकच जाय. मुक्क्ल पटीं दिनेश केन्ना केना गांवांत येता, तो खंय वता, कोणा बरा उलयता, कोणा मेळूक वयता, सगळी चवकशी काड. म्हाक दिसता हो रावण प्रेमांत पडला उरतलो. कोण ती चली काय म्हण पळय. श्रीमंत उरल्यार हरकत ना. आनी गरीब उरल्यार लांच दिवन तेका पयस केल्यार जालें. आनी तरी आयकल ना, तर मुकार कितें विचार करचो पडतलो.

पांडू : सावकार तो बायकार वयता आनी हांव त्या पडंग पडिल्ल्या सायकलार. खंय म्हण सोदूं?

रमाकांत : अरे हांवें तुका समुद्रांत खसखस सोद म्हणला? आनी आमगेल गांव कितें मुंबय म्हण केला? आज ना फाल्यां तुका तो खंय ना खंय मेळाटलोच.

ांडू : (स्वगत) जाल ना आतां? हेमगेल बापूय पुता मदी चिड्डुचें हांवें. अरे पापया तुका कित्याक जाय आशिल्लें. (उगड) सावकार हांव खंय खंय म्हण सोदूं तेका?


माकांत : पोळ्यां मेट धन्न तरंगां मेट, चित्ताकुला धन्न कद्रा, आनी कारवार धन्न मल्लापूर, कैगे पर्यंत चल. वच, कामा लाग तूं आनी म्हागेल बोड खायनाका.

ांडू : (भीत भीत) तरी तो खंय मेळ्ळो ना जाल्यार?

माकांत : पयलीं कारवार बीच, मुन्सीपालटी गार्डन, गडा वयलो किल्लो, तिळमाती बीच, देवाबागची बीच, हांगा पयलीं सोदूं वच. खंय ना खंय तरी तुका तो मेळटलोच. चल टायमपास कन्नाका. चल, कामा लाग. (भितर वता).

ांडू : जाल ना आतां? गांवभर फिरते राव. आनी बायलां गांवभर फिरतात म्हण तेमकां फिरता भागरत म्हणटात. आतां आनी हे लोक म्हाक कित नांव घालतले कोणा खबर. तरी तुमकां बी तो खंयी दिसलार म्हाका सांगा. हां तुमी आतां पळयलाच न्ही तेका, बरें वयता हांव. देवी शांतादुर्गे म्हागेल कामाक यश दी गे. म्हागेल आवय. (भायर वयतां.)

पड्डो



रामालें घर

(प्रवेश 4)

(राम खुर्चेर पेपर वाचतेर बसला. वेळ तिनसांजचे, परत परत दारा कडेन वचून वाट पळयते उरता, परत पेपर वाचता.)

राम : हे खंय पावले काय? एका दनपारां गेल्ली बायल ही पेज जेवन, आजून घर म्हण ना तेका. आतां आनी दिवेलावणे येळ जाली, तरी ह्ये बायलेलें पत्तो ना. ह्या म्हातारकाळांत कसले त्या ब्युटी पालराचें पिशें लागलां ते देवा खबर. ये सुमना आई, पळय गो खंय पावला काय म्हण. नातर त्या गुलाबी, शेवतें, तारामती नातर त्या ओंवळागेर तरी पळोवन यो. थंय चकाट्यो मारते आस काय म्हण पळय गो. तुमकां आनीक एक गोश्ट सांगतां. ती घरा आशील तेन्ना हांवें मातर लेट कन्न येऊं जाय, आनीक आनीक माणसुकी ना. पुराय घर कित्याक, पुराय वाडो ही बायल माथ्यार घेता.

सीता : (प्रवेश करता. दारार रावता, चकचकीत साडी, दोळ्यांक गॉगल, खांदाक व्होड पर्स, केंस सोडिल्ले आसात.) आबा, त्या खुटी पारराक वचून येता म्हणलार इतलो वेळ जालो.

राम : (लक्ष दिवन) आं? ही आनी कोण? ह्या तीनकात्रेर खंच्या काऱ्या रुखा वयलो म्हारू काय हो? म्हागेल आवय केन्न केन्ना म्हणटाली, त्या भागील पायकाल्या देवळा मुखार आशिल्ल्या ओंवळा झाडार चवंडी आस म्हण. ती बी आमगेल घर पावली ना मूं? काय ही आलवातीण काय? कोण म्हण कळना ही बायल? अगो बाये, अगो सुमना, धांव गो, आमगेर कोण येयला पळय. (भिवन खुर्चेर उबो रावता, परत देंवता, परत चडटा) अगो धांव गो, धांव. म्हागेल आईन सांगिल्लें चामड्या वस्तू उरलार म्हारू धावन वयतात म्हण. (भिवन भिवन) राम, राम, राम, राम, अगो सुमना, खंय मेल गो तें? राम, राम, राम, राम, अगो सुमना, खंय गेल गो तें? राव तुका बाळाले बूट हाडटा. (धांवत भितर वता)

सीता : आब्बा पळयलें? हांव कशें चेत्र्ज जाल तें ? हेमी सुद्धां म्हाक वळखूं जमल ना. तरी पळोवया हेमगेल मजा, हांव हांगा बसतां. (खुर्चेर पुतळो असो कन्न बसता)

ाम : (भायर येता. हातांत बूट आसा) राम, राम, राम, राम, (बूट सीते मुखार उडयता). आब्बा हो म्हारू चामड्या वस्तूक बी भिना? म्हाका दिसता हो अचाट म्हारू उरतलो. अगो सुमना, धांव गो, अगो तुगेल आईक तरी आपोवन हाड. तिका तरी भिवन हो म्हारू वयता काय म्हण पळया गो. (परत खुर्चेर चडन रावता) सुमना ये सुमना, अगो भायर यो गो. घरांत चवंडी घुसला. तिका भायर घाल गो. अगो सुमना भायर यो.

ुमन : (प्रवेश करता) आनी हें कितें बाबा तुमी खुर्चेर कित्याक उबे रावला? असो बोंबले देंटा कड्ल्यान कित्या बोब मारता? भितर तुमगेल आवाज आयकून कितले भिलें खबर आसा?

राम : (सीतेक दाखयत) अगो ही पळय हांगा कोण बसला पळय. आलवांतीण, काय चवंडी काय म्हण पळय गो, म्हाक भंय दिसता.

सुमन : (सितेक पळोवन) अरे बाबा ही तर आमगेली आई. आनी तुगेल बायल सीता.

राम : आं? कितें? हें सिता? (खुर्चे वयल्यान सकल देंवता)

सीता : कोण म्हण केला? जालें काऱ्या रुखा वयलो म्हारू, ओंवळा रुखा वयली चवंडी, आनी आलवांतीण म्हण जालें? आनीक कांय म्हणचे ना? तोंडा मातर भंय ना. काडली जिबली लायली ताळ्याक.

राम : अगो बाये कसलो अवतार कन्न येयलां? मागीर तुका कोण वळखतलो? आनी हे शिगम्या कांय दीस न्ही. हे सोंग कन्न येयलां म्हण सांगूंक.

सीता : म्हाक कोण वळखूं जाय म्हण ना. तुमी वळखले हय? बाय पळय म्हाक कशें वळखलें तें. म्हागेल प्रितीचें तें बाय.

राम : अगो बाये, हें आनीक कोणें तुका सांगिल्लें ह्या वयात? आनी तो गॉगल काड, कोणी म्हणत सितेक केन्ना मोतीबिंदूचें ऑपरेशन जाल काय म्हण. टोस्ट आनी बिस्किटां पुडे घेवन वाड्या वयले लोक लायनी लायत.

सीता : आं हो न्ही भायर उनत पडिल्लें म्हण घातिल्लें. केन्ना काळोख जाल ते कळ्ळेंच ना.

सुमन : आई आज खूब सुंदर दिसत मगे?

सीता : हांव सुंदरच बाये पयलींच्यान. आत मातर भागलां. हातीची वाती आनी

पायाची मेणबत्ती जाला इतलेंच. लग्न जावचे पयलीं कशें अश्शें (मोट्ट आसलें अशें दाखयता) आशिल्लें. लग्न जावन ह्या घरांत येयलें आनी पयलींचें आंग आनी पयलींचो रंग नाच्च जावन गेलो. पूण हांव तरी सुंदर हां, पूण तुगेल बापायक खंय दिसता?

राम : आत आनी कित पळयतलों तुका?

सीता : जेन्ना पळोवंक जाय आशिल्लें तेन्ना सारकें पळयलें ना.

राम : आं? तुका पळयनासतना हो संवसार केला हांवें?

सीता : संवसार? हें सगळें हांवें उबें केलां. काम कन्न आनीक पयशे हाडन्न दिले म्हण संवसार जायना. लक्ष घालूं जाय. पयशे हाडन्न दिले आनी तीन टायम भूस मारलो म्हण संवसार जायना.

राम : बाये आत कित जाल तुगेले? तुजे कडेन आनीक उलोवची माणसुकी ना. उलयल्यार आंगार येता. चल हांव वयता भितर (भितर वयता)

सीता : पळयलें हो दादलो असोच. मात कित म्हण उलोवंक दिना. गेल तो भितर.

सुमन : आसूं गे आई आतां. तो तुगेल वाट पळोवन बेजान्न गेल्लो गे.

सीता : खबर आस म्हाक तुगेल बाबाली तनन्ना. तूं बी त्यात बापायली धूव न्ही?

सुमन : आई, तूं अश कन्न येयल्यार वाड्या वयलो आनी हे लोक बी तुका कित म्हणत मगे?

सीता : लोका तोंडा लाय व्होन्न उजो. म्हाक लोकाली पर्वा ना. हांव कित तेमगेली पोटली खाऊंक वयता, काय तेमी म्हाक पोसचें पडलां? सांगत आशिल्ले आनी तुका. आनी म्हाक म्हण कितें म्हणटले? आनी म्हणलार बी फाटल्यान मुगो, मुखार उलोवंक दम्म आस मुगो तेमकां? आनी कित दम्म आसा ह्या सीतेक कित म्हणूंक?

सुमन : तरी आई....

सीता : तूं गप्प राव गो. आज तूं कितल्या येईल गो कॉलेजांतल्यान? अभ्यासा बी लक्ष आस मुगो ? खंय केस बूक काय येस बूक पळयते बशिल्लें? काय तो उजो लागिल्लो मोबायल घेवन बशिल्ले काना लावन. केन्ना पळोऊं तो मोबायल कानाक.

सुमन : ना गे आई हांव अभ्यास करते बशिल्लें.

सीता : कोणा खबर. दोळ्या आड मसण पाड. आवय शांतादुर्गे ह्या पोरालें जात तितले बेगी हात हळडुवे करूं मेळ्ळ्या पुरो गे म्हाज आवय.

सुमन : ना आई, हांव इतले बेगीन लग्न जावचें ना.

सीता : गप राव गो थंय. अगो माटोवभर लोकांक पांय पडलें म्हण व्होंकलेक घोवगेर वयचें चुकता? तशे वाडील चलयेक जास्त दीस घरा बसोवन घेनात गो आवयबापूय. म्हाक कित जाय तूं हांगाच्यान गेल्लों. (पदर दोळ्यांक लायत) प्रत्येक बायल पोराले हें नशिबांत उरताच गो. आसूं तें आतां. चल बाबान रांदलां मुगो? आत आनी म्हाजे कडे कांय करूं जायना, त्या खुटी पारराक गेलें, आनी इतलो वेळ जाल पळय.


सुमन : आई कितल पटीं सांगलें गे तुका, ते खुटी पारा न्ही म्हण, अगे तें ब्युटी पार्लर गे.

सीता : तेंच तें पाड पडूं तें. चल बाये भितर या रांदचेकुडींत हेमी कित कित कन्ना दवरलां देवा खबर. त्या दिसा मातर अशें शेंवतू मावशेगेर गेल्लों. येवूंक मातर कळाव जालो, ह्या दादल्यान शिता वाळणी, वाळमणाचेर घालचें सोडन त्या मोडिल्ल्या स्टुलार घालन्न दवरलां. असलो हो दादलो. आनी विचारल्यार सांगता वाळमण खंयच मेळ्ळो ना म्हण. खंय ह्या दादल्यालें लक्ष उरता खबर ना. हार व्हर पोटभर. फकत च्या आनी भुसाचेर लक्ष ह्या दादल्यालें.

सुमन : आसूं गे आई आतां. पुरो कर तें चल आमी भितर वचुया पळोवया. म्हाक मगे भूक लागल्या.

सीता : चल बाये चल. म्हागेल तें सरचें न्ही. चल भितर चल. (दोगी जाण भितर वतात.)

पड्डो



गार्डन सीन

(प्रवेश 5)

पांडू : (प्रवेश करता, तोंडा वयलो घाम पुसत आसा). आब्बा, नाका रे बाबा ही चाकरी. गेल्ले चार आयतार जाले कांटे म्हण ना खुंटे म्हण ना, वयर म्हण ना, सकयल म्हण ना, खंयचे झाडांत, आनी खंय खंय म्हण ना, ह्या आमगेल्या धाकले सावकाराक हांव सोदतेर आसां. तरी बरें सावकाराल्या घरा आनीक काम ना. एका सकाळीं पारार सुटिलों. आत ही पळय दनपार जाली, अ... य अ... य (धेंक काडीत) आब्बा पुरो जालां. तरी बरें सावकारान जेवणा बी पयशे दिला म्हण. तसो दिलदार हा आमगेल सावकार. पूण नाक आशिलकडेन हात बारीक करता. कित उरूं आज आयतार न्ही म्हण, अमृत हॉटेलांत दोन प्लेट चिकन बिर्याणी मारली. आनी हांगा पळय कितलें बरें वारें मारता. आत मातर दोळो लावचो विचार करतां. खंय आड पडटलों? (आजुबाजून पळयत) हां हांगा हो पळय गांधीलो पुतळो आसा आनी थंय न्हिदूंक बी बरो जागो आसा. तरी आत मातर आड पडटा, आनी हुनत मातर मोव जाऊं, मागीर धाकले सावकाराक सोदू गेल्या जालें. (भितर वयता)

सुमन : (प्रवेश करत) खंय पावलो काय हो? केन्ना वेळार म्हण पावना. सदांच लेट.

दिनेश : (प्रवेश करता. फाटल्यान येवन दोळे धरता) सांग पळोवया कोण?

सुमन : (हांसत) मळबा सकल्ली घोण, (दोळे सोडोवन घेत) कित रे कितलो वेळ?

दिनेश : ना गो घरा काम आशिल्लें, आनी आयतार न्ही मेळचो एक दीस. आनी दोन व्हाडेर पांय. कित करतलो? तुका तर मेळूंक जाय आनी घरचीं कामा बी उरतात न्ही? चार आयतार जाले तुगेल दर्शन ना म्हाका.

सुमन : आनी हांवें कशे चार आठवडे काडलात ते म्हाकाच खबर आसा. एक आठवडो म्हण सांगून चार आठवडे म्हाक वाट पळोवंक लायले न्ही?

दिनेश : आसूं आतां तें. रात गई बात गई. आज येवन पावल न्ही, चार प्रेमाच्यो गोश्टी उलवया न्ही आमी ?

सुमन : हय आनीक कित तर ?

गाणें

दिनेश : सुमन चल हांव वयता. म्हाका जरा काम आसा गो. प्लीज हांव वयता रागार जायनाका गो. मुकाल पटीं हांव बेगीं येता.

सुमन : (रागान) हूं!

दिनेश : अगो कित करता ? हांव तुका कितें काणी सांगतां ?

सुमन : मागीर तूं बेग्गीं कित्याक वयता ?

दिनेश : प्लीज स्वीट हार्ट म्हाका काम आसा. प्लीज हासून हां म्हण न्ही प्लीज, मुकाल पटीं येत म्हणलार तुगेलो हांसतो चेरो दोळ्यां मुखार म्हाका येवूं जाय प्लीज.

सुमन : बरे बाबा, यो तूं हांव आनीक पांच धा मिनटांन हांगच्यान वयतां. चल बाय स्वीट हार्ट.

दिनेश : बाय स्वीट हार्ट (वयता).

(सुमन हांगाथंय फिरत आसा, पांडू प्रवेश करता)

पांडू : ये... ये... शूत... शूत... शूत.

सुमन : (स्वगत) हे आनीक कोण काय शिगम्या सोंग ? (उगड) हां कोण तुमी ? म्हाका कित्या आपयतात ?

पांडू : अगो ह्या तिळसांजेर तूं एकटेंच कितें करता ? आनी तो तुका एकलोच सोडन गेलो ? आनी कोण गो तो ? हांव बरो थंय गांधीजी बरा न्हिदिल्लों, (जीब चाबता) न्ही न्ही त्या गांधीजी पुतळ्या सकयल न्हिदिल्लों. तुमगेल गाण्या आवाजान हांव उठलों).

सुमन : (भिवन) म्हणलार तुमी आमगेलीं सगळीं उलोवणीं आयकल तर? देव म्हज्या.

पांडू : ना गो, म्हाका पयसल्लें आयकना आनी लागींचें दिसना.

सुमन : (स्वगत) ह्या मेल्ल्यान कांय आयकल ना तर, बरें जालें, बाबा. (उगड) मागीर गाणें कशें आयकल तर तुमी?

पांडू : हेमी आसा न्ही वाजयतले. तुमी गाणें म्हणचें आनी हेमी वाजोवचें. आनी कोण आसा काय ना म्हण ना, कोण न्हिदला म्हण ना, तेमकां तरी येदोळ वयतना हेमकां सांगून गेल्लों, मातर थंय आड पडूं वयतां म्हण. कोण गाणें म्हणटा काय म्हण पळयतां. हेमी म्हागेल न्हीद हाळ केली.

सुमन : हां अशें आसूं आतां. हांव वयतां तर.

पांडू : राव गो मातर. हां तो कोण गो? तुज बरा उलयतालो. आनी गाणें म्हणटालो? आनी म्हाका एक सांग गो तूं त्या सकल वाड्या वयल्या रामाले चली न्ही गो?

सुमन : (आंग काडत स्वगत) अरे बाबा सांपडलें मूं हांव, हेका आनी कित सांगूं, खरें सांगून उडयिल्लें बरें. कोंब्याक धांपून दवरलो म्हण फालें जावचें रावता? (उगड) तुमी म्हाका वळखतात? हांव तुमकां वळखल ना मूं.

पांडू : हांव त्या वयल वाड्या वयलो गो. आयतार बाजारा म्हण आयिल्लों. मातर हांगा आड पडिल्लों. बरी न्हीद लागली हां, हेमी म्हाका उठोवन घातलें.

सुमन : (स्वगत) आनी म्हागेलो घात केलो. (उगड) हाय मामा.

पांडू : (आवाज होड कन्न) कितें मामा? हांव कित तुगेल घोवालो बापूय काय, तुगेल आवयलो भाव गो? म्हाक तूं मामा म्हणटा. हांव वयान व्होड न्ही हां. आनी मातर केंस पिकलात म्हण हांव जाणटो न्ही हां. तशें आतां पाळण्या घातिल्ल्या पोराले सुद्धां केस पिकतात गो बाये.

सुमन : तें जालेंत. तरी तुमी म्हाज पेक्षां व्होड, आनी व्होड मनशाक नांवान उलो मारूं जायना, म्हण मागेल आवो बाप्पान रीत शिकयला. तुमकां राग येयलो तर म्हाका तुमीच सांगा, तुमकां कित म्हण आपोऊं? अंकल, काका, अण्णा काय दादा?

पांडू : (स्वगत) आतांच्या पोरां कडे उलोवची आनीक माणसुकी आसा? (उगड) बरें बाये तुका जाय तें म्हण.

सुमन : हांव तुमकां अंकलच म्हणटां तर!

पांडू : तें आसूं, म्हाका एक सांग, तो कोण गो तुज बरा आशिल्लो.

सुमन : म्हागेल घोव तो (लजता).

पांडू : आं, गळ्यांत ना मंगळसुत्र आनी तो घोव म्हणटा, सांग तो कोण म्हण.

सुमन : (लजत) तो म्हाज बरा आशिल्लो... तो.... तो...

पांडू : कित तो .... तो .... करता, नांव ना तेका आनी खंय रावता तो?

सुमन : अंकल म्हाका लज दिसता (लजता).

पांडू : लज दिसता? येदोळ बरें मुगो तेगेल कडे गुलुगुलू उलयतालें, आनी गाणें म्हणटाना लज दिसली ना गो?

सुमन : तेमगेल थंय वयले वाड्यार तयटेमाडा कडे घर.

पांडू : आनी ह्या गार्डनांत कित करताल तर?

सुमन : ना अंकल तो म्हागेलो जावचो घोव. हांगा आमी आयताराक एकमेकांक मेळूं येतात.

पांडू : जावचो घोव, मागीर सांग मुगो तेगेल नांव, अशें शरमेता कित्याक?

सुमन : ना अंकल, म्हाका लज दिसता.

पांडू : (तापून) अगो बाये तूं लजत रावतलें काय नांव सांगतलें?

सुमन : तेमगेल नांव न्ही..... तेमगेल नांव न्ही..... शी बाये म्हाका लज दिसता, आमी लोका मुखार घोवाले नांव एकेरी घेऊं जाता, तरी बरें घेतां घोवालें नांव अंकल तुमगेल माथ्यार बसून काळो कावळो करता काव काव आनी रमाकांत सावकाराल्या पुताली बायल हांव हांव.

पांडू : (आश्चर्यान) आं, म्हणलार रमाकांत सावकाराल्या त्या दिनेशाली जावची बायल?

सुमन : (लजत) हय अंकल.

पांडू : (स्वगत) हात चोरा, देव पावलो, चोर मेळ्ळो तर, आब्बा इतले आयतार फीरफिर फिरलों. आतां सार्थक जालें पळया. (उगड) हां बाये केन्नाच्यान हें तुमगेल प्रकरण चलतें आसा ?

सुमन : (रागान) अंकल, तोंड सांबाळन उलयात. हांव कित तसलें चली म्हण केलां, आमगेल पवित्र प्रेमाक तुमी प्रकरण म्हणटात. म्हाका दिसता तुमकां आमी तुमगेल्या घरांतल्या पोरांक असलीं प्रकरणां करची संवय उरतली. हांव बी तेतूंतली चली म्हण केला, काय शिता वयल्यान भाता परिक्षा करतात तुमी. आनी तुमगेल वय पळोवन हांव ह्या क्षणाक गप्प रावलां ना तर...

पांडू : ना गो बाये ना चूक जाली मागेली. हांवें तशें कित्याक म्हणिल्लें खबर आसा. तो इतलो गर्भश्रीमंत, आनी तुमी मध्यमवर्गीय. आनी हांवें अशें आयकलां की रमाकांत सावकार बरी वरदक्षिणा दितली चली आपल्याली सून कन्न हाडूं पळयता म्हण ?

सुमन : हय अंकल, म्हाका खबर आसा तें. हेमी म्हाका सोण्ण दुसऱ्या बरा केन्ना बी लग्न जावचें ना हें म्हाका खबर आसा. आनी म्हाका तेमचेर पूर्ण विश्वास आसा. जरी हेमी श्रीमंत उरले तरी आपल्याल पांयांचेर उबे आसात, आनी हेमी म्हागेली आनी आपल्याल बापायली जबाबदारी घेऊंक समर्थ आसा.

पांडू : तें हय गो. पूण समजा बापायन तेका खंयी आडकात्रेंत धरलो, आनी दुसऱ्या चलयेबरा लग्ना तयार केलो तर कित करतल तुमी ?

सुमन : अंकल काळी न्हंय कांय पयस ना न्ही आमकां ?

पांडू : आं, म्हणलार तुमी दोगी जाण जीव दितल तर ?

सुमन : हय अंकल, आमी जीव दितलीं, तुमकां कितें प्रॉब्लॅम आसा ?

पांडू : म्हाका प्रॉब्लॅम ना गो, मागीर तेमगेली आस्ती पास्ती कोणाक तर ?

सुमन : अंकल, म्हाका एक सांग मनीस जल्मा येतना कित घेवन येता, आनी मेल नंतर कित घेवन वयता ? जिते आसतना सगळे माजें माजें आनी मेल नंतर जालें खाजें म्हणटात न्ही, केल्लें उरता आनी रांदिल्लें सरता.

पांडू : (स्वगत) वा बरी हुशार आसा ही चली. जाल्या जावेत हां, (उगड) हय बाये, तूं म्हणटा तें खरें त्या श्रीमंत लोकांले....

सुमन : अंकल तुमी वळखतात तेमकां?

पांडू : हय, (जीब चाबून) ना.... ना... ना... तशे रमाकांत सावकाराक कोण वळखनात कारवार गांवांत?

सुमन : अंकल, आत हांव वयता, म्हाका लेट जालार आई संवतली.

पांडू : मागीर तो मुखार गेलो आनी तूं कित्या बाये फाटीं रावलें तर, तेजे बरा वच्चों न्ही?


सुमन : अंकल, तेज कित जाल काय म्हणलार आमी हांगा मेळूं येता म्हण कळ्ळ्यार, आनी ह्या गांवचे लोक आशिल्ल्यान पाडे, कोणालें बरें जाल्लें नाका तेमकां. तेमगेल पोरान कितें केल्यार जाता. गरिबान केल्यार गांवभर बोब, म्हणटात न्ही गरिबान शेण खालें तर भुकेक खालें, आनी श्रीमंतान खालें तर वखदा खालें. इतलो कितें फरक. मन मना उलयतल्याक व्होर रे बेताळा.

पांडू : (हांसत) बरें उलयता मुगो एकेक. जाल्या जावेत हां तूं बाये.

सुमन : तरी अंकल, म्हाका सांग, हांवें उलयिल्लें चूक तर? बरें अंकल, येत हांव, आनी प्लीज अंकल आमगेल ही प्रेमाकाणी इतले बेग्गीं कोणाक सांग नाकात हां, प्लीज अंकल. आत हांव येतां. बाय अंकल. (वयता)

पांडू : गेलें, आब्बा आत सूऽऽऽ जालें पळय म्हागेल जिवाक. म्हागेल एक व्होड काम जालें. गेले म्हयनोभर दणदणे काडिल्ल्याचें आज सार्थक जालें. आत हें सगळें रामायण सावकाराल्या कानार केन्ना घालतां अशें जालां. पूण आज दिनेश उरतलो घरा कडेन. फाल्यां तो गोंयां गेल नंतर सांगल्यार जालें. हय, तशें करता. आज बरी न्हीद पडटली. गेल म्हयनोभर गांव हेडन्न हेडन्न पुरो जालां जिवाक. बरें येतां हांव. (वयता)

पड्डो



रामालें घर

(प्रवेश 6)

(सीता खुर्चेर बसला. वेळ सकाळची, आनी सुमन प्रवेश करता, तेगेल्या हातांत पुस्तकां आसात).

सीता : खंय बाये सकाळींच?

सुमन : खंय म्हणलार? कॉलेजा वयतां हांव आई.

सीता : इतले सकाळीं कॉलेजाक? थंय कितें पयलीं वचून सान्न मारू जाय, काय क्लासाची चावी काडूं जाय?

सुमन : ना गे आई, नाका जाल्लें कितें उलयता तूं? आज आमकां एक्स्ट्रा क्लास आसा गे. तशें म्हण बेगीं वयतां.

सीता : आनी कितें गो सोमार ते शेनवार पर्यंत मास्तर तुमगेले कितें करतात तर? फक्त पगार घेऊं जाय म्हण कळटा आनी शिकोऊं जाय म्हण कळना? मेल्लो दिंबीभर पगार घेतात तरी पावना, म्हण एक्स्ट्रा क्लास घेवन आनी पगार घेतात काय कितें गो? काय वयली मलय खावूंक गो?

सुमन : तें म्हाका खबर ना, हांव वयतां पळया, तुज कडे उलयतें रावल्यार म्हाका वेळ जाता.

सीता : चल तूं. हांवें राव म्हणलार तूं रावतलें थोडेंच. तरी बाये, केल पोलीस आसल्यार दी पळोवया (हाता बोटां पळयत) खूब दीस जाले नाखटां लायलेक ना.

सुमन : (हांसत) अगे कितले पटीं सांगलें तुका केल पोलीस न्ही, नेल पॉलीश म्हण, (नेल पॉलीश काडूंक हात बेगांत घालता, सोदता, लक्ष ना, एक फोटो बॅगांतल्यान सकयल पडटा) आई हें घे नेल पॉलीश.

सीता : (फोटो हातांत घेवन) हो कोण गुलाम गो. बरो सुंदर दिसता मुगो. हो बी तुगेलो एक्स्ट्रा क्लास न्ही मुगो? तुमगेल कांय सांगूं जायना बाये. पयलींचो जमानो ना आतां.

सुमन : (गडबडटा) आई..... तो ..... आई .... तो

ीता : कित तो... तो करता? नांव ना गो तेका?

ुमन : आस गे आई तेगेल नांव मुगे दिनेश.

ीता : अगो तो कोणालो? खिंचो? कोणालो चलो? कित करता? खंय रावता?

ुमन : अगे राव.... राव.... किते गे अशी रॅपीड फायरा म्हणकी प्रस्न विचारता.

सीता : बरें बाये सांग म्हाका कोण तो?

सुमन : आई त्या वयल वाडया वयल्या रमाकांत सावकारालो चलो तो.

सीता : आं? त्या दळीद्री भीकमाग्या, कट्टटेतुकड्या सावकारालोच चलो मेळ्ळो गो तुका? गांवांत आनीक कोण नाशिल तर? (लोकां दाखयत) हांगा पळय मुगो काय बरे बरे चले बसलात, तेतूंतलो एक्क चलो मेळ्ळो ना हय गो?

सुमन : आई, तेमकां कांय म्हण नाका हां. आमी एकमेकाचेर मनांतल्यान प्रेम करतात. आनी हांव लग्न जातलें तर तेज बरा हां आई, पयलीं सांगून दवरता.

सीता : बाये, बाये, इतलो राग येत तर तुका? तो रमाकांत सावकार लोकांक लुट्टटा मुगो?

सुमन : तो लोकां लुट्टटा उरतलो. पूण हेमी तशें ना हां आई.

सीता : आं, तुका कश कळ्ळे बाये? तूं भविश्य बी पळयता की कित गो? त्या सावकार लोकांली वंडरां म्हाका सांग नाका हां. त्या तेतूंत त्या रमाकांत सावकारालीं वंडरां! उजो लागूं मेल्ल्याल सोंडाक.

सुमन : आई. रमाकांत सावकार तसो आस म्हण दिनेश तसो ना गे.

सीता : हयी? कित्या वयल्यान म्हणटा तूं हें सगळें?

सुमन : आई, हांवें तेका पयलींच सांगलां, आमी देवाल्या आनी जाणटेल्यांल्या आशिर्वादान लग्न जावया म्हण. आनी तो म्हणटाल गे, बाबान जर लग्नाक विरोध केल्यार आमी पळन वचया म्हण. पूण हांव तयार जाल ना. तेन्ना म्हाका तेणें वचन दिला तुगेल उतरा भायर हांव वच्चों ना म्हण.

सीता : हयी! मागीर कित करचें पुता? हेतूंतले इतले बेग्गीं तुगेल बापायक सांगून कांय उपेग ना बाये.

सुमन : आई, हेतूंतले बाबाक इतले बेग्गीं काय सांग नाक गे. तेगेल तो दोस्त येत पळय तेक कळळ्यार गांवभर करतलो.

सीता : हय गो बाये, बरोबर उलयलें तूं. तुका हांवें फुला परमाण जपलां. पयलीं लोक आमकां पळयल्यार दोळ्यांत माती आनी गोबर एकत पटीं घालन घेतात.

सुमन : आई, हांव वचूं गे? तो वाट पळयत उरतलो.

सीता : वच, आनी बेग्गीं यो घरा. आनी मुखार कित करचें ते पळयतां. हातां तरी कितें आसा? आस ती तुगेल बापायली इस्टेट. कित काय म्हणलार, नाल्ला बोंडे, पिडे, सोण्णां, आनी पिराडे आनी चुडटां. देवी शांतादुर्गे, पाव गे म्हाज आवय. स्थळ बरें आसा, जमूवन येयल्यार पुरो. तुका कापड घान्न होटं भरतां.

सुमन : आई, काळजी करनाक गे, सगळें सारकें जातलें, आनी तेतूंत तुगेल बोडान कित तरी आयडिया काड गे. हांव येतां हां आई. बाऽऽय (भायर वता)

सीता : हेमगेल च्या जाल काय? पोळे काडील कांय आवाज ना. तर जाल उरतली च्या. पयलीं च्या पिया आनी मागीर सांतेबाजाराक गेला जालें. आज आयतार न्ही, आनी मागीर हुनतांत पुरो जाता जिवाक. चल च्या घाल्ल्या इल्ली ताळ्यार. आयकलां, च्या तयार जाली?

(भितरल्यान आवाज) हय, हय यो तूं. (भितर वता).

पड्डो



गार्डन सीन

(प्रवेश 7)

दिनेश : (प्रवेश कन्न) खंय पावले काय हे? शेर्त गेल्ल चार आठवडे नाशिल न्ही हांव, आनी हांव केन्ना बी लेट कन्न येतां म्हण, हें आज मुद्दम लेट करता दिसता. कंपनींत भरती काम आशिल्लें, आनी year ending न्ही, तश कन्न म्हाका गांवा येऊं मेळ्ळें ना. (भायर पळयत) यो यो, माय स्वीट हार्ट, आनीक वेळ लायनाका मागेल हार्ट फेल जातल गो. (सुमन प्रवेश करता). (रागान) हें कितें गो, हो येवचो टायम, कितलो वेळ म्हण वाट पळोवची ती? वाट पळोवची म्हण हद्द उरता तुमगेल बायलाल मुगो हे अशेंत, कितले पटीं केंस वळयतात आनी तीं किलपां खंय खंय लायतात तें तुमकांच खबर. म्हाक त्या हारशाचो इतलो राग येता म्हण सांगूं? तो तुमकां सकाळ धन्न सांज पर्यंत पळयते उरता. असो राग येता तूं हारशां पळोवंक लागले की तो जमनी मारया अशें दिसता.

सुमन : अरे शाण्या, इतलो राग बन्नी हां, बिपी हाय जातलें. एक दीस एक मायतो म्हाका लेट जालो कितें, पुराय गांव माथ्यार घेऊं लागला. आनी मातर वाट पळयली हेतूंत बिगडले कितें?

दिनेश : तुका खबर ना, म्हाका वाट पळोऊं बेजार येता म्हण?

सुमन : दुसऱ्याल सोड, म्हागेली बी वाट पळोऊं तुका बेजार येता? आनी हांव तुगेली वाट पळयतां तेन्ना? म्हाका बेजार येना?

दिनेश : तशें न्ही गो, बेजार येना वाट पळोऊंक पूण एक म्हयन्या वयर जाल तुगेल प्रत्यक्ष दर्शन ना.

सुमन : मागीर, म्हागेल फोटो आस न्ही, तुमगेल कडेन. त्या फोटवाक पळयते रावचें न्ही. (हासता)

दिनेश : फोटो आस गो, पूण पळोवन खंय पोट भरता. उलोवंक खंय मेळटा त्या फोटवा कडेन.

सुमन : मागीर दिसा दोन दोन पटीं फोन कोण करताले? तुमीत न्ही?

दिनेश : तें जालेंच गो, आत तें आसूं, म्हाका सांग म्हाज्या पयलीं येवचे मनीस तूं, आज इतलो लेट कित्या जालो तुका?

सुमन : हय, हांव बेगीं भायर सरिल्लें येऊंक, पूण आईन मदेकात धरलें, आनी तिका नेल पॉलीशा बाटली काडन्न दितना तुमगेल फोटो पर्सींतल्यान भायर पडलो, आनी मागीर पुराय काणी सांगची पडली.

दिनेश : आं! आमगेल प्रेम काणी तुमगेल घरा कळ्ळी? आनी आईन कितें म्हणलें?

सुमन : आईक हांवें सगळें सांगलां. तुमी आईक पसंद आसात, पूण...?

दिनेश : अगो अशें मदेकात थांबलें कित्याक?

सुमन : आईक तुमगेल बाबाली करणी पसंद ना. आनी तुमगेल बाब वरदक्षिणे शिवाय लग्ना तयार जावचो ना. आनी आमच्यान काय तुगेल बाब सांगता तितली वरदक्षिणा दिऊं जावची ना. आत मुखार करचें कितें, काय म्हण हांव उलयतें मदें थांबलें.

दिनेश : राव गो आमी किते तरी मार्ग काडया न्ही. तूं अशें नर्वस जाय नाका पळोवया.

सुमन : मार्ग? म्हाका आनी हेतूंतल्यान मार्ग दिसना. म्हाका भंय दिसता.

दिनेश : भंय दिसता? कसलो? हांव तुका अर्द वाटेर सोडन्न वचत म्हण न्ही.

सुमन : ना पूण....

दिनेश : अश भिनाका. तुका म्हाजेर विश्वास आस मुगो? म्हाका एक आयडिया येयला. आमी मुगो पयलीं रजिस्टर लग्न जाल्यार कशीं? मागीर कोणाच्यान काय करूं जावचें ना आनी तुगेल भंय बी ना जातलो.

सुमन : हय, ही आयडिया बरी आसा, पूण.

दिनेश : आनीक येयलो तुगेलो पूण?

सुमन : ना, पूण बाब तुमकां घरांत घेतलो? आनी घेतलो ना, तर तुमी कित करतले? तुमी तेमगेल एकलेच पूत.

दिनेश : कांय ना. हांव कसो स्वतंत्र आसां, म्हाक म्हागेल बायलेक पोसची आनी संवसार करची ऐपत आसा.

सुमन : तरी बाबाक अशें एकलें सोडचें म्हाक बरें दिसना.

दिनेश : (हांसत) बाबा? बाबा आनीक एकलो? बाबा बरा इतली लोकां लुटिल्ली इस्टेट ना.

सुमन : तुमी बाबाक अशें म्हणनाका न्ही. म्हाका मागीर जिवाक कित तरी दिसता.

दिनेश : अगो हांवें तुका जें सांगलां, तें खोटें तर? म्हाका बापूय आसा म्हण तरी हांव घरा येतां न्ही, हांव म्हागेल कर्तव्य करतां.

सुमन : हय, तें बी तुमगेल खरें म्हणात.

दिनेश : हांव पुतालो धर्म करते आसां. आनी करते रावतलों, तेमी बापायलो धर्म करूं. आनी लग्न आनी संवसार बी करतल हांव. म्हाका मागीर बापायन घरांतल्यान भायर घातल्यार बी जाता, म्हाका तेजी पर्वा ना.

सुमन : तरी आमी कित करतली? म्हाका कांय सुचना न्ही.

दिनेश : म्हाका एक मार्ग सुचला, तो तुका सांगतां, आमी जात तितले बेग्गीं रजिस्टर लग्न कन्न सोडया.

सुमन : हय आमी तशें केल्यार एकदम बरें जातलें.

दिनेश : जातलें? जाऊंकच जाय. पूण एक अडचण आसा.

सुमन : अडचण? आतां आनीक कसली अडचण? आनी म्हज्यान कित मदत करूं जमता?

दिनेश : तेतूं कित आसा, रजिस्टर लग्न करतल जाल्यार निशाणी जाय. म्हागेल वाटेन दोस्त घालतल गो, पूण तुगेल वाटेन कोण येतलो निशाणी घालूंक? हीत एक अडचण आसा.

सीता : (टाळी मारीत प्रवेश करता) आनी हांव तुगेली मामी म्हण कित्या जिती आसां? तूं भिनाका हांव येतलें निशाणी घालूंक पुता.

सुमन : (आश्चर्य जावन) आई तूं आनी हिंगा?

सीता : हय पोरा हांवूत तुगेल फाटल्यान येयिलें. थंय झाडा फाटल्यान रावन तुमगेलीं उलोवणीं आयकतालें. कितलेंय जाल्यार आवय न्ही? प्रत्येक आवयक आपल्याल वाडिल्ल्ये धुवेली चिंता ही उरताच न्ही पुता? धुवेलो संवसार बरो जावचो, धूव बरे कडेन पडची हीत इत्सा उरता आवय-बापायली.

दिनेश : मामे कित्या गे तूं अश उलयता ?

सीता : ना पुता, सुमनान म्हाका तुगेल बद्दल सगळें सांगिल्लें, तरी म्हाका विश्वास जाल ना. कारण कितें काय म्हणलार एके आवयलें

काळीज पुता (दोळ्यांक पदर लायता). आतां म्हाका पक्को विश्वास जाला आनी जांवयबापू, म्हाका माफ करा.

दिनेश : मामी माफी कसली मागता? आवय बापायन पोराक माफ करचें उरता?

सीता : ना, हांव चुकलां, आनी चुकीक ही क्षमा मागची रीत आसा पोरा. मागीर तो मनीस व्होड उरूं नातर ल्हान.

दिनेश : मामी म्हाका आमगेल बाबालो भंय दिसता, तेमकां फक्त पयशा आशा, पूण मनशां पारख ना. मामी आतां आमी कित करया?

सीता : पुता तूं काय भिनाका, पयलीं रजिस्टर करया, आनी तुमगेल ह्या प्रेमा मदीं कोण आड येता तेका हांव बरोबर लया पावयना तर नांव सीता म्हण काण्ण उडयन. पुता, म्हाका केन्ना रजिस्टर ऑफिसांत येवचें तें सांग.

दिनेश : सुमन पळयलें मुगो, खरे प्रेम उरल्यार कामां कशीं घडून येतात पळय. आतां म्हाका खरो भंय ना. मामी जालें फाल्या सकाळीं धा घंट्यार तुमी ऑफिसांत येयात. हांव थंय म्हागेल दोस्त आसा सुरेंद्र म्हण, तेका मुखाल्लीं सगळीं कामां करूंक लायता.

सीता : हय पुता, पळय व्होडले मणा वोजें म्हागेल काळजा वयले देंवलें. पुता, येतां हांव. आज आयतार. म्हाका सांते बाजारा वचूं जाय. हेमकां रांदून दवर म्हण सांगून येयलां.(सीता वयता)

दिनेश : आतां आमकां कोण म्हणलार कोण विंगड करूं शकना. आतां फक्त तूं थंय हांव, आनी हांव थंय तूं.

सुमन : हय म्हाका एक दुगदुगो आशिल्लो तो देवादयेन ना जालो. हांव आतां खूश आसां.

दिनेश : आनी हांव कमी खूश तर? चल तर ह्ये खुशींत एक गाणें तरी म्हणया, हेमकां बरें दिसतलें.

पड्डो



रमाकांताचें घर

(प्रवेश 8)

रमाकांत बसला. कारकून पांडू प्रवेश करता

पांडू : (धांपेता) आब्बा, देवा, भगवंता, जाले सावकारानू तुमगेल काम जाले. कितले त्रास जाले खबर आसा? दर्यांत खसखस सोदचें हें काम, आयकता न्ही सावकारांनू तुमी हांव कित सांगतां तें?

रमाकांत : (ध्यानांत येवन) हां सांग सांग, हांव बाळाल्या हुसक्यांत आशिल्लों. म्हण लक्ष गेलें ना रे. सांग कित तें सांग म्हाका. बाळालें एक पटीं लग्न जालें की हांव सुटलों बाबा.

पांडू : तें काम जालेंच म्हण समजा.

रमाकांत : आं, बाळान चली पास केला? खंयची? कितली वरदक्षिणा मेळटली तेमगेल कडल्यान? जाऊं, तुवें फोटो हाडिल्ल्याचें सार्थक जालें.

पांडू : (स्वगत) हो दादलो बोडान बी सारको ना काय? (उगड) सावकार, कित्या तुमी शिता पयलीं मीठ खातात? हांव पयलीं कितें सांगतां तें आयकता, आनी मागीर तुमगेल तो तोंडाचो तोफखानो सुरू करात. पयलींत सगळें खालीं कन्न बसनाकात.

रमाकांत : बरें बाबा, तूं उलय, हांव आयकतां. सांग तू पयलीं. दोन आठवडे जाले तूं ना आमगेर. सांग तू सांग, आयकतां.

पांडू : हांव काल सांजेरच येवचो, पूण बाळ घरा उरतलो म्हण येयल ना, कळ्ळे?

रमाकांत : कित्याक? बाळा मुखार सांगल्यार कितें जाता आशिल्लें? तो आजूनय शरमेता खंय? लग्ना वाडलो तरी शरमेता?

पांडू : (स्वगत) ह्या दादल्या मुखार माणसुकी ना. एक सांगल्यार दोन उलयता. (उगड, बेजान्न) सावकार, म्हाका पुराय खबर सांगूं दिया न्ही? तुमी म्हाका खंय कामा लायिल्लें? याद ना, धाकले सावकार खंय वयता, कोणा मेळटा तें काम. आता तरी लक्षांत येयलें?

रमाकांत : हयी, बरोबर. मागीर?

पांडू : मागीर आनीक कितें, फाटलें म्हयनोभर देवा सोडिल्ल्या बकऱ्या म्हणकी पुराय कारवार गांवांत फिरते आसां. तरी म्हाका मेळ्ळोत तो.

रमाकांत : खंय, आनीक कोणा बरा?

पांडू : (हळू आवाजांत) तसो तो म्हाका मेळ्ळो ना. तो कोणाक मेळटा पळय, तें म्हाका थंय कारवार गार्डनांत मेळ्ळें.

रमाकांत : आं, तुवें रंगेहात धरलो? बरो हुशार मरे, जाल्या जावेत हां तूं.

पांडू : (आवाज हळू कन्न) ताचें कितें जालें सावकार...

रमाकांत : अरे पटापट उलोवंक जायना. सांग तूं, हांव संवना तुका. पळोवया कित दिग्वीजय कन्न येयला काय म्हण पळोवया.

पांडू : सावकार त्या दिसा दनपारां कारवार अमृत होटॅलांत जेवन हांव अऽऽसो गार्डनांत गेल्लों, थंय बरो वारो मारतालो. थंय मातर आड पडलों.

रमाकांत : मुखार सांगतलो काय नमनाक घडोभर तेल घालतलो?

पांडू : तर खंय पाविल्लो हांव, हां... हां... त्या थंड वाऱ्यान म्हागेल दोळ्याक झांपड येऊं लागली, आनी हांवें थंयच ताणून घेतले.

रमाकांत : तूं पिंडान कुंभकर्णालो भाव. तूं आनीक आड पडल्यार बेगीं उठ्ठा? रावण, तुमकां सांगता एक पटी आंगणांत धान आसा म्हण हेका न्हिदयलो, तर सकाळीं ह्या रावणाल आंगार कोंबो येवन साद घालन्न गेलो, तरी हो हालना ना उठना, हांव तर भिवन गेलों खबर आसा?

पांडू : आसूं आतां ती खबर, आनी तेमी म्हाका खंय न्हिदूं दिलां? तेमी दोगी जाण हातांत हात घालून गाणें म्हणटाली आनी सगळें कमी म्हण हेमी तेमकां वाजोवन साथ करताले. त्या आवाजान हांव उठलों, न्ही उठचेंच पडलें.

रमाकांत : अरे बाबा मागीर कितें जालें?

पांडू : मागीर आनी कितें? म्हाका न्ही... म्हाका न्ही (लजता) त्या शेंवत्याल्या आबोल्याली याद येयली. तेन्ना हांव आनी तें अशेंत सुरीपार्कांत गाणें म्हणतें उरतालीं.

रमाकांत : (हांसत) तूं पींड गाणें म्हणतें रावलो, आनी त्या आबोल्याक वयल वाड्या वयल्या गोंयदुल्या चेड्यान फुसलावन व्हेलें मरे? आनी लग्न जालो. तेजे खातीर तूं लग्न जायनास्तना आतां त्या करीना, करिष्मा आनी कातरीनाले फोटो घेवन भोंवता. हो मेल्लो(हांसता) मरूं ते, मेल्ले म्हशीक बारा शेर दूद. तें सांग मुखार कितें जालें?

पांडू : (रागान) जाल तुमगेली मस्करी सुरू. ना तर हांव वयतां. (वचूं लागता)

रमाकांत : (आडावन हाडटा) अरे बाबा, रागार जायनाका. चल हांव आनीक मस्करी करना, चल सांग मुखार जाल कितें.

पांडू : जातलें कितें? बाळ पयलीं थंयच्यान गेलो, आनी तें फाटीं रावलें.

रमाकांत : तें कित्याक फाटीं रावलें? आनी तेका फाटल्यान कोणी मेळूंक येवचो आशिल तर?

पांडू : (बेजान्न) सावकार म्हाका तुमी सगळें सांगूं दितले काय मदीं मदीं उलयते रावतले? खंयचे एक सांगा म्हाका.

रमाकांत : चूक जाली बाबा, म्हागेल सभावच तसलो.

पांडू : तें कित्या राविल्ले खबर आसा? तेमी दोगी जाण प्रेम करतात म्हण सगळ्याक कळटलें, आनी आपूण प्रेम करतां तो पोर श्रीमंतालो आसा तें बी खबर आसा तेका. एक मात खरें हां, दोगांलें एकमेका मदीं अतूट प्रेम आसा सावकार.

रमाकांत : येऊं तो घरांत दाखयतां तेका लव्ह बीव.

पांडू : जालें तुमगेलें सुरू? तुमी खंय आसात? थंय बाळ तेका पळोवन घेवन वयचे तयारेंत आशिल्लो, पूण तें चली तयार ना. तें म्हणता, देवा ब्राह्मणाच्ये साक्षीन आनी आवयबापायल्या आशिर्वादान लग्न जावचें नातर काळी न्हंयेंत उडी घेवची, अशें तें म्हणटालें. तुमी तर वरदक्षिणे फाटल्यान लागलात तुमी तुमगेलो हट्ट सोडिनात, तरी बाळा लग्न जाल्यार नातर जीव दिल्यार कितें करतले तुमी? खंय तोंड घेवन तुमी गांवांत फिरतले? सांगात आतां म्हाका.

रमाकांत : मागीर तेका घर ना, आनी ही इस्टेट लेगीत ना.

पांडू : सावकार एक उलयता म्हण रागार जायनाकात हां, बाळाक ह्या घराची

आनी तुमगेल्ये इस्टेटीची गरज ना. ना तर तो हीं सगळी ऐशारामाची जिंदगी सोडन गोंयां कामा वयता आशिल्ले? आतां आनी तो घरा उरना, आठवड्या एक पटी येता आनी केन्ना केन्ना म्हयनोभर गांवांत येना, म्हाका दिसता तेका कांय फरक पडचो ना. फरक पडटलो तो तुमकां.

रमाकांत : कित्याक?

पांडू : कित्या म्हणल्यार? तो तुमगेल एकलोच पूत, आनीक कोण आसा तुमकां, आनी तो ना तर मागीर घरभर कट्टेंत मेणबत्ती पेटोवन वयर सकल फिरते रावात, भटकंती आत्मो अशे.

रमाकांत : (गंभीर जावन) तें बी खरें तुगेलें. आतां करतले कितें?

पांडू : सावकार एक बरी आयडिया आसा. पयलीं त्या चलयेल्या आवय–बापायक मेळया आनी एक काम करया (कानांत सांगता). आं, कळ्ळें? कशी आसा आयडिया?

रमाकांत : ही बरी आसा आयडिया, कितें चलता रे तुगेली खोपडी, म्हाताऱ्या!(जीब चाबता).

पांडू : हांव म्हातारो, आनी तूं? कितें सोळा वर्सांचो पोर तर, तूं म्हाज पेक्षां दोन वर्सान व्होड. मागीर म्हातारो कोण? (रागान) आनी खबरदार म्हाका म्हातारो म्हणलो जाल्यार, सांगून दवरतां हां.

रमाकांत : आसूं रे मरूं, चल आमगेल कामा लागया न्ही, चल. (दोगी जाण वयतात).

पड्डो



रमाकांतालें घर

(प्रवेश 9)

माकांत : खंय पावेल काय हेमी, एक म्हयन्यान हेमकां म्हूर्त मेळ्ळा येवूंक.

ांडू : सावकार मातर धीर धरात. हीं लग्ना उलोवणीं, आनी कितें येवचें च्या पिवचें आनी वच्चोंन्ही. तुमकां म्हण सगळ्या कामांक गडबड.

रमाकांत : तुका कितें सांगूंक, तुगेल बरें, बायल ना पोरां, रावता मागेल घरा.

ांडू : बायल ना पोरां म्हण कितें जालें? बाळ तर म्हागेलत न्ही. आनी तेगेल लग्नाक म्हाका खुशी ना म्हण पुराय गांवभर हेडन्न तेका चली सोदूं लागील न्ही. आतां तेणें आपल्याल हेतूंत चली सोदला, तर जाऊं तेगेल मना सारकें.(स्वगत) हो म्हातारो ओग्गी कडमडटा.

रमाकांत : (तापून) पांडू, तूं बरो जाग्यार आसा मरे? चाकरी म्हागेली आनी भाकरी भाजता तेगेली?

पांडू : राव सावकार अशें तापतात कित्याक? हांव कितें खोटें उलयलां? आतां पयलींचो काळ गेलो तो. आतांचीं पोरां बरीं हुशार उरतात हां, शिक्षणान बरें आमचे मुखार पावलात.

रमाकांत : मुखार पावलात म्हण पोटाक अन्नाच खातात मरे?

पांडू : अन्न खायनात तर कितें माती खातले? सावकार, तुमगेल म्हण नाका जाल्लेच हां.

रमाकांत : नाका जाल्लें किदें? तूं बी ह्या दिसान खूब शाणो जाला.

पांडू : मरूं तें, तुमगेल तोंडाक लागूं म्हाका ना अक्क्ल.

रमाकांत : मरूं तें, तेमी खंय पावला काय म्हण पळय. ह्या व्होंकलकाराक इतलो डिमाण्ड. म्हाका दिसता हें कारवार गांवांत पयले खेपे घडटा की न्हवरेकारागेर लग्ना उलोवणीं उलोवक व्होकलकार येतात. पाड पडूं तें. अरे त्या आखाड्याकडे वचून पळय पांडीत खंयी दिसतात काय म्हण.

सीता : (भायल्यान आवाज दिता) कोण आसा व्हय घरांत ?

पांडू : सावकार येयले दिसता तेमी. (मुखार वचून) येयात, येयात. अशीं भितर येयात. बसात, अनमन्नाकात हां बसात.

(सीता आनी राम प्रवेश करतात. सीता रामाले कानांत कितें तरी सांगता, राम तकली हालयता)

सीता : नमस्कार. भावोजी, जरा वेळ जालो पळया. माफ करात हां. मरूं ते, पट्कन्न येतल म्हळ्यार रिक्षा सुद्धां ना. बस्स तर पाड पडलात, कारण गांवच पयलीं पाडपडिल्लो. आनी ते टेम्पो पुराय लग्ना भाडीं मारूं लागलात. गांवाक चुकल्यार वांवाक चुकता. तशें कन्न आमकां बस चुकली.

राम : अगो बस्साक कित्याक गाळी मारता? तुगेल नटूनच जाल नाशिलें मुगो. अशें नटला की जणूं आपूणत लग्न जातल अशें.

सीता : (तापून) तुमी गप्प बसात पळयात (राम आंग काडटा) तुमकां मदीं उलयले शिवाय जायना. तरी बायेक सांगिल्लें हांवें बाबाक आनीक नाका गो म्हण. तरी म्हाकात दिसलें कोणी सांगाता जाय न्ही म्हण. तशें म्हण हाडले तुमकां ते मदीं उलोवंक न्ही हां, आतां मातर गप्प बसात. हें घर तुमगेल न्ही आमी सध्या लोकांगेर येयलात.

रमाकांत : अगे होनये, मागीर तुमी अशीं चमकुन येयलीं?

सीता : ना, हांव एकट्याली लिफ्ट मागून येयली. हेमकां सांगलें चमकून येयात, म्हण हांव मुखार आनी हेमी फाटल्यान. हेमी येवन पावता म्हणलार त्या जायुगेर वचून बसलें. चार फकी मारता म्हणलार हेमी येवन पावले अशें कन्न लेट जालो.

रमाकांत : आसूं तें आतां. तुमी आमगेर पावलीं आनी बरें दिसलें. तरी रामदादाक कांय म्हण नाका गे होनये.

सीता : तेंकां कांय म्हण नाका म्हणटां, भावोजी तुमकां म्हण सांगतां, हेमकां न्ही खंय कितें आनी कशें उलोवचें म्हण आजुनी कळना.

पांडू : आसूं गे होनये, कित करतले, आमगेल दादल्यांलो जल्म हो.

राम : तुमी बराबर उलयले, पळय कारकून माम.

सीता : तुमी आनी तेतूंत हयाक हय मेळयनाकात मातर गप्प रावा.

रमाकांत : होनये, तुमकां कित्या आपयलां हें पांडून सांगलांत उरतलें न्ही, हांव आनीक परत सांगिना.

सीता : (पर्सींत हात घालन फोटो आनी जातक भायर काडटेर) हय, हय, भावोजी, हें पळया हो फोटो, आनी हें जातक.

रमाकांत : नाका होनये, तें सगळें परत भितर घालात. म्हागेल चल्याक तुमगेल चली आवडली हेतूंत सगळें येयलें.

सीता : भावोजी एक सांगतां म्हण रागार जायनाकात हां, जातक पळयना बरें आसा, तरी कुळदेवाक प्रसाद पाकळी बी?

रमाकांत : ना, ना, होनये तें आनीक कित्याक? आताचीं पोरां आयकतात असल्या गोश्टीक? तो जमानो गेला आतां होनये.

सीता : हय तें बी खरें तुमगेलें.

रमाकांत : कळ्ळें, होनये आनी रामदाद, आज पर्यंत देवान आमकां काय कमी केल्लें ना. मागेल घर भन्न दार ओत्ता.

सीता : (स्वगत) हयी, सगळें लोकां लुटून केलां, आनी हो मेल्लो देवाक भरीक घेता. (उगड) आं! हय, हय, भावोजी!, कोणें ना म्हटलां नवकोटी नारायण तुमी.

रमाकांत : (हांसत) आसूं गे होनये, इतली बी तोखणाय कन्नाका. तरी म्हाका एक सांग तुमगेल बी कितल्या खांड्यांचें शेत आसा?

सीता : (स्वगत) आत पळयात गाडी कशी रुळाचेर येऊं लागला म्हण. (उगड) भावोजी, तुमकां आनीक खबर ना, पुराय कारवार गांवचीं शेतांभाटां तुमकां खबर नात तर (हासता)

रमाकांत : (हांसत) खबर आसा गे होनये, तरी खात्री कन्न घेतिल्ली बरी न्ही.

सीता : हयी, तश जालार बरें आसा. थंय तयटेमाडा कडें भजीं बीणात धा खांड्यांचें, मागीर तळारांत पंदरा खांड्यांचें आनी केख आंब्या कडें बारा खांड्यांचें आनी थंय रस्त्या तेंकून वयले वटेन आस तें फकत पांच खांड्यांचें, कळ्ळें?

रमाकांत : आं, म्हणलार वट्ट (बेचाळीस) खांड्यांचें शेत आस म्हण जालें न्ही होनये?

सीता : हय, हय, (स्वगत) ह्या गुलामाक आमगेल शेतार नदर कित्याक काय भडव्याक ?

राम : (होळूत) तो असो विचारता उरतलो तेमी होड सावकार न्ही ?

रमाकांत : व्होनये कित जाल गे ? तुमी दोगूत जाण उलयतात अशे ?

सीता : कांय ना, कांय ना, हेमगेल उरतात एक एक. सांगात तुमी, आमी पयलीं चलयेकार म्हणलार आयकोवचे काम आमगेलें न्ही ?

रमाकांत : व्होनये चलयेक वस्ती बी केला मगे? आमकां कांय नाका आं. तरी विचारतां म्हण रागार जायनाकात आं ?

सीता : जास्त कांय ना हो, चार कांकणां, दोन पाटल्यो, दोन तोडे, लक्ष्मी हार, बाजूबंद, नथ, पोंवळ्यां माळ, चपलाहार, दोन जोड रिंगां, दोन जोड कुडकां त्या भायर एक फोडो, आनी एक आमगेल बायलाल खबर ना तुमकां आनी बारीक बारीक उरतात न्ही.

रमाकांत : (पांडूक कानांत सांगता) वा, पळयले, हें काय न्ही म्हणलार 50 तोळे तरी जाले उरतले न्ही ? मागनासतना मेळटां. बाळान बरें पास केलां हां चली.

पांडू : (हळूत) तुमी तोळे पळोवन दोळे वयर करनाकात, आनीक आनीक हातांत बी काय घालनात म्हण विचारशात.

सीता : भावोजी कित जालें ? कमी जातात वस्तू? आनी आमच्यान घालूं जायना. आमगेली ऐपत तुमकां सांगली. तरी चल्याक सरपळी, मुदी, मास्कोत आनी घडयाळी पटो आसा आं.

रमाकांत : (हळू पांडूक) जाऊं रे, आमगेल बाळान नशीब काडलें हां. हांव आनी मनात म्हाज विरुद्ध प्रेम कन्न लग्न जाता म्हण राग धन्न आशिल्लों.

पांडू : (हळू रमाकांताक) आसूं सावकार, सगळें जाता तें बऱ्या साठींच न्ही ?

सीता : कितें बाये हेमी मनामनांत उलयतात देवाक खबर. भावोजी, आमीय बी आसात हांगा.

रमाकांत : कांय ना, कांय ना, व्होनये. आमगेलेत ते. बरे व्होनये, रामदादा केन्नाचो म्हूर्त धरया ?

सीता : आं, तुमी ताटांत बी कांय सांगलां मूं? मागीर आनीक नाका त्या टिव्ही वयल्ये एके एके धारावळींत दाखयतात तें पळयल्यार चली आनीक कोणागेर जावची न्ही, आनी जाली जाल्यार, काळी न्हंयेंत बुडोवन मारची अशें दिसता.

रमाकांत : अशें कित्या म्हणता व्होनये, बेटी म्हणलार धनाची पेटी.

सीता : (स्वगत) धनाची पेटी? ह्या मेल्ल्याक समा दाखयतां. आनी कित कित ओंकता काय पळया (उगड) भावोजी, धनाची पेटी हय पूण, तुमी आतां कांय सांगनात तर मागीर ऐन वेळार आमच्यान दिवूं जायना.

रमाकांत : बरें आसा व्होनये, आता तुमी सांगतात म्हण हां, म्हागेल पुताक एक कार घेवन दियात. बायक आसा पूण कार उरलार केन्ना केन्ना जांवय तुमगेर येयलार तुमकांच वंडर न्ही, आनी तुमकांयबी जांवया बरा फिरूं मेळटलें न्ही?

पांडू : (रमाकांताक होळूत) सावकार, तुमी तर कार बूक केला न्ही? आनी कार तुमकां कित्याक?

रमाकांत : (होळूत) अरे, पिशा हेमी दिता जाल्यार ती कॅन्सल केल्या जाली.

पांडू : (होळूत) बरें, सावकार जाय तें करात तुमी.

सीता : भावोजी तुमगेल कित म्हण म्हाका कळना, येदोळच्यान तुमी दोगी जाण फुतुफुतू करतात. अशें केलार हांव कित म्हण समजूं? कित्या सांग, लग्न म्हणलार दोन जिवांचें मिलन न्ही, तर दोन घराण्याचे मिलन उरता, न्ही. भावोजी तेतूंत आनी अशें जावचें नाका एक लग्न आनी सतरा विघ्न.

रमाकांत : कांय ना गे व्होनये, म्हाका मातर ह्या दिसांत बरी याद उरना म्हण हो म्हाका होळू, होळू एकेक याद करता.

सीता : अशें जाता हो ह्या वयांत. तुमगेल उलोवन जालें तर म्हाका थोडें उलोवूं जाय आशिल्लें.

रमाकांत : व्होनये रामदादाक कितें जालें गे, तोंड साप्प बावलें अशें जालां.

सीता : कांय ना, खूब वेळ जालो न्ही, पोटा च्या पडल ना, म्हण बेजारत आसा तेमी.

रमाकांत : हय मगे व्होनये, हांव विसरन गेलों पळय चायेचें. अरे, म्हाका कित्या याद केल ना. आनी हांव उलयते आसां.

सीता : (स्वगत) कशी याद उरतली गुलामाक? भांगराचें आनी कारीचे आयकूनत अचाट जाल हो.

रमाकांत : (पांडूक) अरे च्या आनी खावच्याक हाड पळया.

पांडू : बरें हाडटां सावकार हां (भितर वता).

रमाकांत : तश म्हण व्होनये घरांत एक बायल मनीस उरच्या जाय. ह्यो सगल्यो रिती भाती करूंक. आमकां दादल्याक खंय कळटात ह्यो रिती भाती.

सीता : आसूं आतां तें भावोजी, बेजार कन्न घेनाकात आनी थोडे दिसान सून येता न्ही, तुमगेल घरांत.

पांडू : (च्याची ट्रे घेवन प्रवेश करता) घे भावोजी, घे व्होनये घे, आनी सावकार च्या घेयात (सगळीं जाण च्या पितात)

राम : भावोजी कार म्हणलार खूब जाल ना?

सीता : पळयलें भावोजी, च्या पोटांत पडली आनी हेमकां वाचा येयली. तरी तुमी गप्प रावात. चली व्होड घरांत पडाटा ती पळयात. कार कित्याक? भावोजीन हॅलिकॉप्टर दी म्हणलार सुद्धां दिता आशिल्लें.

रमाकांत : हॅलिकाप्टर, ना गे व्होनये, आमगेल पयलीं नळ्यां घर. तें खंय देंवयतले?

सीता : ना, भावोजी, मस्करी केली हांवें.

रमाकांत : आनीक एक याद जाली, व्होनये सांगूं?

सीता : (स्वगत) अगे म्हाजे आवय, रेल्वे बी मागना मूं लचांड?

रमाकांत : व्होनये, आनी रामदादा, हांवें कार बी मागला म्हण पुता मात कळूं दिनाकात हां, हांव तेका तुमी ती खोशयेन दितात म्हण सांगतलो.

सीता : (स्वगत) आब्बा, मातर सू जाल पळय (उगड) आनी आंगा वयल्या वस्तींचें?

रमाकांत : तें तुमी घालतलेच न्ही. तुमगेल धुवेक स्त्रीधन तें.

सीता : भावोजी आनीक कांय ना न्ही तुमगेलें?

माकांत : आनीक कांय ना गे व्होनये, आतां म्हूर्त केन्ना धरया म्हणटा?

सीता : राव हां भावोजी हो म्हयनो कसो वचूं. आनी लग्न म्हणलार कित पाना लावचो चुनो म्हण केला? काडलो लायलो. तयारी नाका?

रमाकांत : तयारी नाका आनी, लग्न म्हणलार थोडी जबाबदारी.

सीता : हय तर, तरी भावोजी म्हाका थोडें उलोवचें आशिल्लें. तुमी राग बी धरनात जाल्यार उलयतां.

रमाकांत : ना गे सांग तूं, म्हागेल तुमी सगळे आयकून घेतलें ना. हांवें म्हण आयकूं जाय न्ही तुमगेले.

सीता : आमी इतलें घालन कन्न्या दितात, मागीर कार म्हणलार खूब जाल न्ही?

रमाकांत : (नर्वस जावन) आं, म्हणलार तुमी कार दिनात तर आमकां?

सीता : आमकां खर्च खूब जातल न्ही तर.... तर ...

रमाकांत : तेतूंत आनीक तर कित्याक गे? पुराय 42 खांड्यांचें शेत आस तुमगेलें, थोडें विकून उडयात. हांव जाल्यार गिरायक पळयतां.

सीता : (स्वगत) पळयलें, चोर कसो जाग्यार येयलो तें. आमगेल शेत वीक म्हणटा. तुका दाखयतां राव.

रमाकांत : कसलो विचार करता व्होनये?

सीता : कांय ना भावोजी, फकत रस्त्या वयली जमीन आमगेल ताब्यांत आसा. थंय तीन कडची जमीन बँकांत लोनार आसा. ती आनीक खंय विकूं मेळटा?

राम : (तापत) सिते, म्हाका सांगनासतना बँकांत शेता पेपर व्हरन्न दवरला.

सीता : तुमी गप्प बसात पळयात. नाका जाल्ली चवकशी. आनी नाका जाल्ले तेन्ना उलोवंक कोणें सांगलां तुमकां. हांव उलयतां न्ही तेमचे कडें.

रमाकांत : मागीर कित करतात तुमी? (तोंड येदें करून) मागीर जांवयाक कार ना तर?

सीता : तश कशें जातलें भावोजी, हांवें तुमकां कार दितां म्हण उतर दिलां.

रमाकांत : मागीर व्होनये तूं अश कित्याक उलयल तर?

सीता : हांव आत इल्लें स्पश्ट उलयतां, वयले रस्त्या वयलें शेत विकलार कार येतली, पूण मागीर खर्च.....

रमाकांत : व्होनये थांबली कित्याक? मुखार उलय तूं कांय भिनाका, स्पश्ट उलय तूं. न्ही रे पांडू, उलय तूं व्होनये उलय.

सीता : तश हांव कित म्हणटालें, लग्नाक दोनी कडचो खर्च तुमी करचो, सांगूंक बेजार दिसता, तरी सांगतां. कार आनी बाकीचो खर्च म्हणलार आमकां खूब जातलें न्ही.

रमाकांत : आं, अशें म्हणटां, बरें आसा. हांव खर्चं करूंक तयार आसां. (होळूत पांडूक सांगता) पांडू कार मेळटा तर न्ही आमकां फिरूंक? मागीर करया न्ही रे खर्च? (पांडू तकलेन हां म्हणटा)

सीता : भावोजी, कितें? मुखार तुमी कांय उलयत नात मूं?

रमाकांत : आं... आं... कांय ना तूं अशी जिवाक त्रास कन्न घे नाका. तें सगळें म्हाजेर पावलें. तुमी कारीचें पळयात.

सीता : ना भावोजी, तुमकां त्रास न्ही, आनी जिवाक कश तरी दिसता. साकर–पुडो, हळद आनी लग्न म्हणलार इल्लो खर्च जास्त न्ही? आनी तेतूंत दोनी कडचो.

रमाकांत : कांय ना गे व्होनये, तुवें म्हाका स्पश्ट सांगलें आयकून बरें दिसलें, (स्वगत) कार मेळटा न्ही कार. त्ये कारी मुखार हो खर्च कांय न्ही.

सीता : मागीर ठरलें तर भावोजी, दोनी कडचो खर्च तुमी करतात म्हण जालें न्ही?

रमाकांत : व्होनये, हें आनीक परत परत विचारचें जालें, (स्वगत) कार मेळटली कार.

सीता : तश जालार बरें भावोजी, आमी येतात तर एक म्हयन्यान. म्हूर्त काडात आनी आमकां सांगात. मुकाल्ली तयारी करूंक जाय न्ही?

रमाकांत : व्होनये तुमी कांय हुसको करनाकात. पळयात फाल्यांच बाब भटागेर वचून म्हूर्त काडन्न हाडटां, आनी तुमगेल सगळें लग्ना सामान पावोवची वेवस्था हांव करतां.

सीता : भावोजी एक सांगूं विसरले, कार खंय हाडन्न दिवूं?

रमाकांत : हय मगे व्होनये हो विचार हांवें केलो ना. तुका कितली काळजी पळय आमगेली. तुमी कार लग्ना हॉला कडें हाडा गे.

पांडू : (होळूत रमाकांताक) सावकार नाका नाका, पयलीं तीन–चार वर्सांचो इनकम टॅक्स आनी भरिल्लो ना. तेतूंत बाळालें लग्न म्हणलार सगळे कारवारातले सरकारी ऑफिसर घर झाडन्न येतले. तेतूंत आनीक हे इनकमटॅक्स वाले येयल्यार तुमी टॅक्स भरलना म्हण भायले भायर ती कार घेवन गेल्यार? मागीर खा तोंडा माती न्ही सावकार?

रमाकांत : (भिवन) हय मरे बाबा, आता कित करचें?

सीता : जाल तुमगेल परत फुतुफुतू करूंक? तुमी कितें विचारिलें उतराक हांवें तोंड फोडन्न तुमकां सांगलां. आतां आनी कित उरलें तुमगेलें भावोजी?

रमाकांत : व्होनये हो म्हणटा, तुमी आमकां कार येय जेवणाक आपयतले न्ही तेन्नाच दी म्हण सांगता.

सीता : (स्वगत) हयी, बरें जालें. हांव बी तें सोदतालें. सूंठ नासतना खोंकली गेली पळय. (उगड) हय, भावोजी हें बरें जातलें पळय. म्हाका बी हें लक्षां येयलें ना. गांवांतल्या लोकां पेक्षां आमगेल वाड्या वयल्या लोकांल्या दोळ्यांत माती, गोबर आनी शेण एकपटीन पडटा. तुमगेल विचार बरो आसा भावोजी, जालें तशेंत करया.

रमाकांत : बरें मागीर ठरलें तर, कार येय जेवणा दिसा तुमगेरच्यान व्होरची म्हण.

सीता : हय भावोजी, तुमी कांय काळजी करनाकात, बरी हांव पॅक बी कन्न दवरतां कार.

राम : अगो, कार पॅक कन्न दवरनात, रेबीन बांदून दवरतात, कळ्ळें.

सीता : तुमी मातर गप्प रावा पळया. पयल्यां पयलीं मदीं उलयनाकात. मागीर जाल तर भावोजी. तरी एक अडचण उरली.

रमाकांत : आतां आनीक कितें जालें व्होनये, कसली अडचण? तीय बी सांगून उडय. (स्वगत) कार मेळता न्ही कार.

सीता : भावोजी, येय जेवणाक हांव कोणाक आपोवचें ना, तुमीय बी कोणाक आपयनाकात. आमी घोव बायल, तेमी घोव बायल, आनी तुमी दोग जाण इतलेच पुरो. ओगीत खर्च न्ही. घुडांत दोन व्होड कोंबे आसात. म्हाका दिसता पाच किलो तर चिकन पडूं जाय. आमगेल वाड्यार सुद्धां हांव कोणा सांगचें ना. तेतूंत आनीक कटकट न्ही. घरांतले पुराय लोक येतले, दाराक बीग लावन, तुमकां सांगतां भावोजी, हांगा देवळांत खंयी जेवण उरलार पुरो, तेमी वयतातच, पूण बरोबर तोपां, बास्किटा, गुळम सगळे घेवन वयतात, भर्न हाडूंक. सांगचें कितें, देवा प्रसाद चाखू गेल्ले आमी इल्लें हाडलें म्हण आनी तेमकां प्रवचन किर्तनाक देवळांत आपयत तर तेन्ना कोणाली कंबर धरता, कोणाली तकली उसळटा, कोणालो पांय दुखता, आनी कोणाल कितें कितें दुखता म्हण सांगूं जायना. फुकट गिळूं वचूंक मात कांय जायना तेमकां.

रमाकांत : कित बोड गे तुगेल व्होनये.

सीता : पयलीच्या जाणटेल लोकान सांगूनच दवरलां, रान्नींत एक खोड आनी घरांत एक बोड उरूंक जाय म्हण, सगळें मागीर सारकें जाता न्ही ?

राम : हय हां म्हागेल बायल खूब हुशार हां बोडान.

सीता : हळद लागूं बाये तोंडाक तुमगेल्या. कितले वर्सान एक बरोबर, आनी अचूक उलयले तुमी. नातर केन्ना मर्दीं पच्चा करची संवय हेमगेली.

रमाकांत : व्होनये, रामदाद, जेवणा टायम जाला, जेवण कन्न वचात न्ही. बरें सुंगटां आंबट, मोरेत सुकें आनी इसवण फ्राय केला.

राम : चलात, चलात, वाडात, जेवनत या न्ही गो आमी घरा ?

सीता : (कपलार हात मारत) जालें. आत सगळें सांगिललें ओमत्या कळशार उदाक. (चाळयत) जेवया आमी न्ही गो हांगा ? मातर तुमकां रीत भात ना. चलयेल्या आवयबापायन जांवयागेर उदाक सुद्धां पिवचे उरना म्हण खबर ना तुमकां. तरी पाप म्हण तुमकां च्या दिवूं लायली. हेजो अर्थ असो न्ही की हांगात भूस. हार व्हर पोट भर. चलात उठात आनी थंय घरा रांदिल्लें कोण जेवतलो ? आनी पोर थंय एकलें घरा आसा. हुसको करते रावतलें. जेवया खंय, जेवया. चलात उठात.

राम : (उठत) चल या मुगो, भावोजी येता हां (भितर पळयता).

ीता : भावोजी येतात हां, बरे कन्न, लग्ना मूर्त काडलो की आमकां कळयात. (दोगी जाणां वयतात).

माकांत : (तेमी गेल अशें पळोवन) अरे पांडू जाल ना काम म्हागेल. सूंठ नासतना खोंकली गेली पळय. आता कारीत फिरूंक तयार राव पापया.

ांडू : सावकार पयलीं हांव सांगता तुमकां मुखार खिडके कडें हांव बसतलों हां.

रमाकांत : तूं मुखार खिडके कडें बसूंक तूं कितें रमाकांत सावकार तर? तुवें फाटल्यान बसचें कळ्ळें?

पांडू : फाटीं तर फाटीं कारींत बसूंक मेळटलें म्हण जाल ना? पूण सावकार कार कोण चलयतलो?

रमाकांत : हय मरे, हो विचार हांवें केलो ना. कोणी ड्रायव्हर दवरल्यार जालो.

पांडू : सावकार, आमी कितें सदां फिरूं वयतले? मागीर ड्रायव्हराक पगार दिवूं नाका?

रमाकांत : हय मरे, नाका, आमी अशें करया, केन्ना फिरूं वयतात पळय, तेन्ना ड्रायव्हराक आपया आनी तेन्ना पुरते पयशे दिवया.

पांडू : हय अशेंत करया. सावकार हेंत बरें जातलें. (स्वगत) म्हाका कितें आंबे खावूंक मेळटना हांव आंबे रूक कित्या मेजूं वचूं?

रमाकांत : चल आमी जेवन घेवया. मुखार आनीक कामां आसात. आतां कार येता न्ही कार, आमकां फिरूंक.

पांडू : हय सावकार, पयलीं जेवन घेवया. कार येतली म्हण उपाशीं रावचें नाका. चला सावकार. (दोगयजाण भितर वयतात)

पड्डो



रस्त्या सीन

(प्रवेश 10)

(राम सीता प्रवेश करतात. सीता मुखार, राम फाटल्यान)

राम : अगो बाये सवका चमकय (धांपेता) म्हागेल पांय दुखतात. आनी ह्या वत कडार म्हाज्यान चमकूं जायना. (घाम पुसता आनी सकल बसता) आऽऽऽबा.

सीता : तें पळय पावलीं घरा कडे आनी इल्लें उरलां.

राम : अश सांगून सांगून तास जावन गेलो. आजून आमगेल घर येयना. ह्या वत कडार तूं घराची वाट बी विसरल ना मुगो? म्हाका दोळ्यां मुखार काळोख येता गो. खंयी रस्त्यार रिक्षा मेळत काय पळय.

सीता : रिक्षा आनीक कित्याक? चलत पावतात घरा कडे. हांगच्यान रिक्षा कन्न वयचें आनी पुराय वाड्यावयल्या लोकान दोळे फुटोवन घेवचे. ना गे बाये, आनी ते तुमगेले शाणू बायलेन पळयल्यार पुरो. गांवभर करतली. म्हण तुमकां रिक्षा नाका म्हणटा कळ्ळें?

राम : ना गो खरेंच. आतां म्हागेल जीव वचूं लागला.

सीता : कांय जायना तुमकां, पावतले आतां घरा कडे थोऽडें उरलां.

राम : म्हाका एक सांग गो, ह्या रमाकांत सावकाराक कार दितां म्हणलां ती खंयच्यान हाडन्न दितलें? आनी शेता जमीन म्हाक सांगनासतना केन्ना अडव दवरली तुयें? आतां अश कन्न घेवन म्हाक आनी केन्ना व्हन्न त्या सांते बाजाराक विकता देव खबर.

सीता : आनीक कितें बडबडनाका तोंड आस म्हण. सांगून दवरतां तुमकां. हांगा लोक आयकतात, ही बायल साप्प घोवा दिसूं दिना म्हणटले. तुमगेली शेता जमीन शाबुते शाबूत आसा, आनी कारी पंचाती तुमकां नाका. हांवें मांडिल्लो खेळ हांवूत मोडटलें कळ्ळें? फकत हांव कित सांगतां तितलें करात, कळ्ळें.

म : बरें बाये (पांय पडत) धन्य तूं.

ीता : चलात आतां, फतकल मारिल्लों पुरो. आनी म्हयनोभर उरला लग्नाक, तयारी करूंक जाय. कामां थोडीं नात.

ाम : (उठात) चल या, पोटां कावळे रडूं लागलात गो.

ीता : चलात, पळयात पावले तें पळय घर तुमगेलें. म्हाका सांगता वाट विसरला काय म्हण. आनी आवाज मातर हळू करा. ती शाणू बायल तेमगेल घरांत ते रांदचेकुडीचे खिडकेंत मेल्ली उरता. ह्या वाड्यार कोण कोणागेर येता, कोण खंय वयता, केन्ना कोण घरां घुसता म्हण सांगतां. तुमकां आमकां आनीक पळयल्यार पयलीं विचारतली आनी कान्टी कशी फाटीं लागून सगळें विचान्न घेतली. मागीर घे वाडोभर क्रॅकींग न्यूज घेवन भोंवतली.

राम : अगो बाये, क्रॅकींग न्यूज न्ही ब्रेकींग न्यूज गो. कळना जाल्यार कित्या इंग्लीश उलयता?

सीता : कळ्ळें, कळ्ळें. चल पावलीं घरा लागीं (दोगी जाणां वतात).

पड्डो



रामालें घर

(प्रवेश 11)

(राम सीता प्रवेश करतात, मेजार एक बॉक्स आसा तें प्रॅझेंण्ट पेपरांत गुटलायिल्लें आसा)

सीता : आब्बा, कशे भशेन लग्न जालें तेंय बी एक पयसो खर्च करिनासतना. तुमच्यान जालार जात आशिल्लें? तश म्हण म्हणटात, रान्नीत एक खोड, आनी घरा एक बोड उरूं जाय म्हण, तें ओगीत न्ही.

राम : हय गो बाये, जालें एक फाटीं लग्न, कित लोक गो तो दोळ्यान आनी पळोवचो न्ही.

सीता : तुमी आतां कित्याक दोळे भायर काडटात.

राम : ना गो, हांव कित्या दोळे भायर काडटलों. (स्वगत) ह्या मारी कडे कांय उलोवचें म्हण ना. (उगड) तें मरूं बाबूक कित्या गोंयां धाडन्न दिल गो? तेका बी येय जेवणा दवन्न घेवचें न्ही? आनी कारीचें कित केल बाये? म्हाक हें पळय धपधप जाता हड्ड्यांत.

सीता : धपधप सुटला? भितर वचून इल्लें साकरी उदा कन्न ताळ्यांत घालात. आनी कारी चवकशी तुमकां नाका. तें हांव पळोवन घेतां. आनी तुमी पळयलें ना, एक दमडी खर्च कन्नासतना लग्न केल तशें तुमी करुं शकता आशिल्लो?

राम : हय गो बाये, जाल्या जावेत तूं. देवा परमेश्वरा सगळ्यांक असलीच हुशार बायल दी हां.

सीता : (आश्चर्य जावन) आं, आज कितें सूर्य पश्चिमेक उजवाडला? हें तुमी आत उलयतात. इतलीं वर्सां तुमकां म्हागेली किंमत कळ्ळी ना न्ही? ना मामेक म्हण जावं त्या खोकानकी नण्णांक म्हागेल केन्ना किंमत कळ्ळी ना.

राम : आसूं गो तें आतां. आनीक कितलीं वर्सां मामेल पुराण तूं गातें रावतलें? ओगी जिवाक त्रास कन्न घेता, आनी तेंत उलोवन बेजार येयना?

सीता : तें मरूं तेमकां भितर सोडन्नाच तुमी भायर येयलात? हांव एक पापीण भायर येवन बसलीं. तुमकां बी म्हाज बरा येवूं जाय आशिल्लें.

राम : (लाडांत येवन) सीता थंय राम, आनी राम थंय सीता म्हण हांव बी तुज बरा भायर येयलों.

सीता : हयी? कळ्ळें तुमकां? (आवाज व्होड करते) भितर वचून पळयात, तेमकां कितें जाय नाका म्हण.

राम : ना, गो, बायेनत सांगलां, म्हाक तुज बरा भायर वचून बस म्हण. आनी ते पळय भावोजी आनीक जेवन हांगात येवूं लागलात.

(रमाकांत, पांडू प्रवेश करतात, धेंकर दीत येतात, आनी पोटार हात भोंवडायतात)

रमाकांत : (पोटार हात फिरयत) ओऽऽय, ओऽऽय...

पांडू : (पोटार हात फिरयत, आनी हाताचो वास घेत) अऽऽय, अऽऽय, अऽऽय.

सीता : (भिवन) भावोजी कित जालें? डॉक्टरा बी आपोऊं जाय? पयलीं हो पाडपडिल्लो गांव डॉक्टर बी आनी बेगीं मेळटात? आनी तेतूंत आनीक आज आयतार.

रमाकांत : ओऽऽय, ओऽऽय, ना गे व्होनये कांय जालें ना. ओऽऽय खूब वर्सान गांवठी कोंबे मेळ्ळे न्ही खावूंक, ओऽऽय, आनी सुनेन नाक नाक म्हणटना चार फोडी जास्त खावयल्यो, ओऽऽय, आनी कितें हाती रूच गे तुमगेल्या साबणान हात धुयलो तरी हातीचो वास वचना, न्ही रे पांडू, ओऽऽय, ओऽऽय.

पांडू : (हाताचो वास घेत) आय ऽऽऽ अऽऽय, हय सावकार.

सीता : (लजत) भावोजी चिकन हांवें केल नाशिल्लें हां, तुमगेल येयानत केल्लें तें. ओगीत म्हागेल पापणीलें नांव नाका हां.

रमाकांत : पांडू, आं.... रामदाद तुमी इतले सुंदर रांदतात. (दोगी जाण रामाल हातीची पापी घेतात) आनी परत केन्न, केन्ना येवचें पडलें शागोती खावूंक.

सीता : येयात, येयात. जाय तेन्ना येयात. आत तुमी ह्या घरचे येय न्ही, आनी तुमकां ना म्हणूं जाता? घुडांत आसात ते कोंबे मातर व्होड जावूं. मागीर परत तुमकां एक दीस आपयतां हां काळजी करनाकात.

रमाकांत : व्होनये, म्हाक तुमगेली ही आयडिया खूब आवडली पळय. ह्या येय जेवणाक आमीत आनीक कोण भायले लोक ना म्हण, चार फोडी आनी पोळे घसघशीत खावच्या मेळ्ळे. न्ही रे पांडू? ओऽऽय.

पांडू : अऽऽऽय, अऽऽऽय, हय सावकार.

सीता : हय भावोजी, आमगेली मामी म्हणटाली. मनशान खाल्यार दुसऱ्यागेर पोट भन्न खावचें.

राम : हय, हय. आमगेल आवो बी हें म्हणटाली हां.

सीता : तुमी गप्प रावात पळयात, मर्दी उलयनाकात.

दिनेश : (प्रवेश करता) मामा, मामे येतात आमी आतां.

सीता : बाळा, राव रे गेला जाले. हूनत मातर मोव जावूं, मातर आराम घेयात. सुमन, जांवयाक मातर माळेर हातुळन्न घालन्न दी पळोवया. आयदनां उरूं, बाब घांसतलो. ये सुमना, आयकल मुगो (सुमन भितरल्यान हय, हय म्हणटा) चल पोरा, मातर आड पडन्नच वचात. आमी हांगा मातर जाणटेलीं उलयते बसतात.

दिनेश : बरें, मामे तुमगेल मना सारके जावूं. (दिनेश भितर वयता, तो भितर गेल अशें पळोवन)

रमाकांत : व्होनये, ओऽऽय तुमी कित तरी विसरनात?

सीता : (बोड खाजयत) हांव आनी पापीण कित विसरतां काय? सगळें सारकें जाला. चिकना आंबटांत हांवेंत मीठ घातिल्लें. हेमकां हेंवाळ्यान चाबला न्ही. हेमी मीठ घातलार अळणी जाता, तश म्हण. पोळ्याक तांदूळ, दाळ हांवेंत भिजों घातिल्ली. (परत बोड खाजयत) कितें ही पापीण विसरला काय ? कित तें याद जायना भावोजी.

पांडू : सारकी याद करा व्होनये. आत तुमीच याद विसरता म्हणलार कितें?

रमाकांत : हय व्होनये, आनी रामदाद, तुमकां बी याद जायना?

राम : ना, बाबा. आमगेल हेका याद ना म्हणलार म्हाक बी याद ना. तुमी बसात हां हांव आयदनां आसात ती घांसून येतां. आनी च्या बी करूं जाय न्ही? तुमी बसात उलयते. (राम भितर वयता)

सीता : खरेंच भावोजी, देवते शप्पत म्हाक कांय याद जायना.

रमाकांत : पांडू (खूण कन्न दाखयत) ही गे व्होनये, खंय आसा.

सीता : पांडू पडू ते, तें लक्षां येयल ना पळय. हांव आनी मार उलयते आसा. ती दिवया न्ही, तुमी कित्या भितात?

रमाकांत : हांवें येदोळ तुमगेल पुराय बागभर फिरन्न येयलो. आब्बा, बागात कितली पिड्यां रास, बोंड्यां रास, आनी चुडटां रास. दोळे पावनात मुगे पळोवूंक.

सीता : (स्वगत) हेजे दोळ्यां माती पडूं बाबा, (उगड) हय, हय. ती आमगेल इश्टेट. बागा फिरन्न त्रास जाल ना न्ही भावोजी? ह्या लग्ना बोवाळांत सगळें सारकें जाग्यार घालूंक हेमकां वेळत मेळ्ळो ना पळयात.

रमाकांत : (हांसत) त्रास आनीक कसले व्होनये? आमी कसली कार, आनी खंय दवरला काय म्हण सोदते आशिल गे.

पांडू : सावकार, व्होनी बरी हुशार आसा हां. कोणी ती कार पळोवन दोळ्यांत माती बी घालन्न घेतल म्हण भितर व्होंवरेंत बी दवरला उरतली न्ही गे व्होनये?

सीता : भावोजी तुमी मागिले हांवे दिलना अशे केन्ना जाला. हें पळयात टिपायेचेर बॉक्स आसा. तेतूंत कार आसा.

रमाकांत : (पांडूक) अरे ही म्हाक त्या बॉक्सांत कार आस कित्या म्हणटा?

पांडू : (सावकाराक) सावकार त्या बॉक्सांत चावी उरतली. गाडी व्होड न्ही, तिका आनी आयरा कागदान गुठलोऊं जाता? म्हण व्होड लोकांगेर अशें चावयेक गुठलावन दवरतात कळ्ळें. आत काडन्न घेयात बॉक्स.

रमाकांत : जाल्या जावेत ही बायल. मानले हिका.

पांडू : सावकार, वेळ कित्या लायतात, तें बॉक्स उगडात आनी चावी भायर काडात. आमकां पयलीं कारीन फिरूंक जाय. (रमाकांत बॉक्स

उगडटा आनी त्या बॉक्सांतल्यान खेळातली प्लास्टिका गाडी भायर काडता)

रमाकांत : हें कित गे वयनी? (रमाकांत घुंवळ येवन पडटा)

.सीता : (मुखार वचून हालयता) भावोजी, भावोजी. कित जालें तुमकां? बाये धांव गो, बाळा धांव रे, भावोजीक कित जालें पळय. आनी खंय गेल तुमी. मरूं तीं आयदनां, हाळ पडूं, मातर बिंदलोभर उदा तरी हाडात कोणी. पांडू आनीक कित पळयत आसा, मातर त्या पेपरान वारो घाल. भावोजी उठात न्ही. भावोजी आत इल्ली च्या तरी पिवन वचा मूं.

(राम, सुमन, दिनेश भायर येयात. सुमनाल हातीत उदका तांबी आसा)

सुमन : आई, आई मामा कित जाल गे?

दिनेश : मामे, मामे बाबाक कित जाल गे? सुमना तांबी हाड इल्लें उदा मारया. (तोंडार उदा मारता) बाबा, ये बाबा उठा न्ही.

रमाकांत : (शुद्धीर येता) कित गे व्होनये, कार दिता म्हण्टा आनी ही पोराली खेळची कार म्हाका दिता?

दिनेश : बाबा, बाबा, तुमकां आराम दिस्ता न्ही जिवाक आनी खंयचे कारी बद्दल उलयतात? म्हाका तर कांय अर्थ जायना.

रमाकांत : तुगेल मामेकत विचार, म्हाका कित विचारता.

दिनेश : मामे, कित जाल गे, बाबा खंयचे कारी बद्दल उलयता.

सीता : हांवें कित केलां भावोजी? आनी तुमच्यान सांगूं जायना ते कारी बद्दल?

रमाकांत : (रागान) खबरदार, म्हाका भावोजी म्हणलार. कित गे गांठीचो एक पयसो खर्च करनासतना, म्हाका ह्या रमाकांत सावकाराक फसयलें तुमी. राव तुमकां पळोवन घेतां. आत्त पोलिसां आफोवन हाडटा. चार बेता पडले शिवाय तुमी सुधारनात.

सीता : पोलिसा कम्प्लेण्ट करतात, करात खुशाल करात. आत पळोवया कोण कितले हुशार म्हण. आपया पोलिसांक, हांव पळयतां कोण कित करता काय म्हण.

राम : (थरथरत) अगो तेमी पोलिसा आपयतात खंय, आनी तूं आपय म्हणटा, अगो तेमी आमकां घालन्न बडयतले मुगो.

सीता : तुमी गप्प रावात थंय, कित कडकडटात.

दिनेश : बाबा, मामे, म्हाका सांगशात तुमगेले हें मदेकात कितें? म्हाक तरी कळूं दी सगळें.

सुमन : आई, कित जाल गे?

सीता : पुता, तुगेल बापायन आमगेल कडे कार मागिल्ली. आमी कार दिली. ही पळय. आमकां खंयची आनी कसली म्हण कळ्ळें ना. मागीर आमी ही कार दिली. म्हागेल कित चूक?

दिनेश : बाबा तुमी हुंडो म्हण हेमचे लागीं कार मागली?

रमाकांत : हय, मागली आनी म्हाक सांग ते धुवेले आंगार आस तें भांगर तरी खरें म्हागे, काय तेंय बी नकली गे?

सीता : आं, अशें कितले तोळे भांगर मागील तर तुमी? आमकां घालूंक तांकलें तितलें हांवें धुवेक भांगर घायलां.

रमाकांत : म्हणलार तुवें हांगा बी म्हाका पान पुसलें मगे? ह्या रमाकांत सावकाराक फटयलें. पळोवन घेतलों हांव तुमकां. चल पांडू चल या घरा...

सीता : भावोजी खंय वयतात? पयलें सगळें आयकून घेयात, आनी मागीर आरामांत घरा वचूंक हरकत ना. आनी सगळ्यांक कळूं दी न्ही कोणें कोणाक फटयलें म्हण.

रमाकांत : हें आनीक तोंड वयर कन्न कित उलयता तूं?

सीता : भावोजी, म्हाका एक सांगात. तुमी त्या दिसा म्हाका कित सांगिल्लों, याद आसा न्ही. तुमी विचारिल्लों धुवेक कित वस्तू बी केला काय म्हण. हांवें हय म्हणिल्लों. हय काय न्ही भावोजी?

रमाकांत : हय, हांवें अशें तुका विचारिल्लों खरें.

सीता : पूण त्यो वस्तू भांगराच्योच जाय हें मात तुमी म्हाका सांगिल्लों?

रमाकांत : ना, पूण अशें कन्न आमकां फटोवचें तुवें ?

सीता : हांवे तुमकां फटयलें ना हां, तुमकां सांगला न्ही आमगेल ऐपती प्रमाण आमी चलयेल्या आंगार भांगर घायलां म्हण.

रमाकांत : भांगराचें मरूं, त्ये कारीचें कितें ? थंय तरी फटयलें मगे ?

सीता : ना, हांवें तुमकां फटयलें ना.

रमाकांत : बरी तोंड वयर कन्न सांगता मगे, फटयलें ना म्हण. सांगूंक अब्रू दिसना ?

सीता : भावोजी हांव आयकत म्हण तुमी तोंडा येत तें उलयनाकात हां. आयकयात भावोजी, तुमी कार मागिलली ?

रमाकांत : हय, मागिल्ली.

सीता : मागीर ती कार खरी काय जात्रेंतली ? आनी खंयच्ये कम्पनीची आनी कितले लाखांची म्हण सांगिल्ली.

रमाकांत : ना.

सीता : ना, न्ही ? मागीर आमी कशे फटयले तुमकां ? तुमी कार मागली हांवें दिली. म्हागेल काम जालें.

रमाकांत : मागीर म्हागेल माथ्यार तुमगेल लग्ना खर्च कित्या घायलो ?

सीता : तें तुमगेल पुताकच विचारा.

रमाकांत : अरे गुलामा, तूं बी हेमकां सामील आसा चोरा ?

दिनेश : ना, बाबा. म्हाका हें लग्न पयलींच सादेपणान जावचें आशिल्लो. आनी हें तुमी करूं दिवचे नात, आनी हेमकां हो खर्च पेलचो ना म्हण खबर आशिल्लें. आनी तुमकांच म्हागेल लग्न गडगंज करचें आशिल न्ही.

रमाकांत : गुलामा, हेंत चली मेळ्ळे तुका प्रेम करूंक आनी लग्न जावंक. ह्या गावांत बाकीच्यो चलयो मेल्ल्यो हय रे ?

दिनेश : बाबा, हांव सगळें आयकून घेतां म्हण तोंडा येयील ते उलयनाकात. आत ती म्हागेल बायल आनी तुमगेल सून. मानान उलयात बाबा.

सुमन : तुमी मातर ओगी रावात पळयात.

रमाकांत : वा: पुता! बायले मुखार हो बापूय तुका परको जाल न्ही, हेत दीस पळोवचे बाकी आशिल्ले.

दिनेश : बाबा, तुमी म्हाका परके आशिल जाल्यार हांव तुमकां सांगनासतना लग्न जाता आशिल्लों. तुमी ह्या लग्नाक तयार जावचे नात हें म्हाका पुराय खबर आशिल्लें, आनी हांवें सुमनाक म्हणिल्लें सुद्धां आमी पळन वचून लग्न करया म्हण. पूण म्हाका तेणें आडायलो. अशें करूंक कारण तेका वडिलाल्या आशिर्वादान लग्न करचें आशिल्लें. आनी कोणालेंय मन दुखोवन हें लग्न करचें नाशिल्लें.

सीता : आनी भावोजी, आमी हें लग्न करूं जाय म्हण नाशिल हां, कारण तेमी पयलींच रजिस्टर लग्न कन्न जालात.

रमाकांत : हें आनीक हांव कित आयकतां?

सीता : आनी भावोजी हें लग्न तुमगेल मरजेनत जाला हां.

रमाकांत : आं? ते आनीक कशें? तूं म्हण बरें एक एक सांगता मगे.

सीता : अश म्हणलार कशें भावोजी? चली मागूंक आमगेल घरांत कोण येयिल्लो? आमी काय तुमी? तुमी आमकां आपोवूंक हेमकां (पांडूक) धाडन्न दिल नाशिल्ले? अरे तूं येयील न्ही रे (पांडूक) आत तोंडांत फोव घालन्न कित्या आस रे गुलामा?

पांडू : हय, हय व्होनये. हांवत येयिलों. सावकारान आपयल म्हण सांगूंक. धाकले सावकार हें खरें हां.

सीता : आत भावोजी सगळें सांगचें आशिल सांगलें. आत तुमी तुमगेल पुता सुनेक घेवन वचूंक हरकत ना.

रमाकांत : (तापून) कोण पूत आनी कोण सून? म्हाका पूत आशिल्लो आतांच मेलो. म्हागेल तेणें विश्वासघात केलो.

पांडू : सावकार अश म्हण नाका. फाल्या हेमगेल शिवाय कोण ना तुमकां, आनी आमकां कोणालो आधार ना.

रमाकांत : तूं गप्प राव रे थंय.

पांडू : बरें सावकार तुमी सांगील तश हांव गप्प रावतां. आनी आयच्यान आनी ह्या क्षणांतल्यान हांव तुमगेल नोकरी सोडटां.

रमाकांत : कित्या रे बाबा तूं अश करता ?

पांडू : सावकार, आज तुमी जल्म दिल्ल्या पुताक वळखनात, तुमी फाल्यां म्हाका कशे वळखतले ? आनी तुमी म्हाका वळखल ना तर खा तोंडा माती. सावकार ल्हान तोंडा व्होड घास घेतां म्हण म्हाका माफ करात. आमगेलीं अर्द लांकडां मसनटीर पावलीं, आनी ह्या वयांत पोरा कडे वायटपण तें कसलें. वयनी तर आमकां बाळ ल्हान आसतना सोडन्न गेल्ली. आनी आत बाळ बी गेलार त्या घरांत तुमीत रावात, भटकतो आत्मो जावन. मेणबत्ती जालार हांव हाडन्न दितां कारवारच्यान. कट्टेंत पेटयात आनी घरभर फिरते रावात.

दिनेश : चल सुमन, आमी आतांच गोंयां वचंकू भायर सरया. जो जल्म दिल्लो बापूय आमकां पयस करता तर आमी आनीक खंय वयतलीं ?

सुमन : आई, बाबा आनी मामा, येतात आमी. आनी काका, येतात हां आमी. आमकां आनीक कांय नाका. आमगेल फाटल्यान फक्त तुमगेल आशिर्वाद आसल्यार पुरो.

रमाकांत : (तेमकां आडायत) खंय वयतात पोरांनो, म्हाका माफ करात. म्हाका सोडन्न वच नाकात तुमी. हांव पयशा आशेन साप्प कुड्डो जावन गेल्लों. आनी म्हाज बरा हो.

पांडू : सावकार, म्हागेल नांव तुमी मदीं घेनाकात हां पयलीं सांगतां तुमकां. कित्या म्हणलार हांव तुमगेल पगारदार.

सीता : भावोजी, चार पांयां जनावरां चुकतात, थंय आमी आनीक मनशां. चुकलें म्हण व्होड न्ही. तुमगेल चूक तुमकां कळ्ळी न्ही. तेतूंत होडपण आस भावोजी.

दिनेश : बाबा, रागाभरांत हांव तुमकां कितें उलयिल्लें उर्लार म्हाका माफ करात. आनी आमकां ते इश्टेटी आशा ना, बाबा, आमी सुखान रावया बाबा.

रमाकांत : हय, हय पुता लोकांक नाडोवन केल्ली आस्ती हांव देवतेक दान करतां. आनी जिवा भिनासतना रावतां.

दिनेश : मामे, तुमगेल आयडियेन हें सगळें केल्ल्यान आमी लग्न जावूंक पावले. तुमगेल सगळ्यांले आशिर्वाद मेळ्ळे.

राम : म्हण म्हणटात पोरांनो, रान्नींत एक खोड आनी घरांत एक बोड उरूं जाय म्हण.

रमाकांत : चलात पोरांनो, चलात घर चलात. (परत एक पटीं सुमन, दिनेश सगळ्यांक पांय पडटात) चलात पोरांनो (सुमन, दिनेश, रमाकांत, पांडू भायर वतात).

सीता : (तेमी गेला अशें पळोवन) आत उलया, आतां तरी कळ्ळी मूं बायलेली किंमत ?

राम : हय गो बाये, मानलें तुका, रान्नींत एक खोड आनी घरांत एक बोड. तरी तुमकां सांगतां म्हागेल बायल हुशार हां! देवा कडे मागात तुमकायं बी असलीत बायल मेळूं म्हण.

....

समाप्त

....

पड्डो पडटा





श्री. संदेश श्रीकांत बांदेकर

काजुवाडा,
सदाशिवगड, कारवार

जन्म तारिक	:	27-07-1972
शिक्षण	:	डि.फार्म (D.Pharm), कर्नाटक व्यवसायिक शिक्षण संस्था. बी. ए. कर्नाटक विश्व विद्यालय, धारवाड. कोंकणी डिप्लोमा सां लुविस महाविद्यालय, मंगळूर
पुरस्कार	:	गोवा कोंकणी अकादमी आयोजित युवा कोंकणी साहित्य सम्मेलनात कथा विभागात अनुक्रमान तिसरें, दुसरें आनी पयलें अशी इनामा मेळलात. तशेच सरस्वति वाचनालय पणजी हेमगेल्या कविता लेखन स्पर्धेत कवितेक दुसरें इनाम मेळ्ळा.

निर्माण प्रकाशन

₹ : 150 रुपया